जाग

रुप्या उत्सवी वर्स

वर्स २५ ◇ आंक १ ◇ ऑगस्ट १९९८


प्राणाक क्षय बुद्धीक भंय फाल्यांक जंय कालचीच वंय
आयलां थंय स्वातंत्र्य तें स्वातंत्र्य न्हय, स्वातंत्र्य न्हय
जे घरांचे खणपि वाते
तेच जंय सन्मान्य दाते
धमार्थ जंय दारांत तांच्या सज्जनांचीय लागता लय
वाटमारे चोर खुनये
जंय प्रजेचे मुख्य थेलये
सत्ताय जंय तांच्या भंयान मारता मिठा नीती नि लेय
पाडसावयले कुंवाळे
काल धवशे आज सांवळे
जंय सदा खुबळावन भौसा व्होतांखातीर घालती शबय
घाण स्वार्थां जंयचे बरपी
वाचतल्यांचे त्राण चिरपी
दिवंक जळ लटक्या अधर्मा काट्टी उजळ उत्रां-कलय
पेज सामको भौस जंयचो
फोव सो कोणेंय कांडचो
पेट्टल्यांचे पांय चाट्टा, पिडटल्यांचो गायता जय
आप जंयच्या सगलें भष्टें
वंद्य परक्यांलेंच उष्टें
हुटकेती तांच्या भितोडे मेळटा ती उखलुंक तळय
पोट ही जंय एक निष्ठा
त्याग कष्टांची कुचेष्टा
जीव आसल्यार खावं भिकेचें होच जंयचो दिग्विजय
आयलां थंय स्वातंत्र्य तें स्वातंत्र्य न्हय, स्वातंत्र्य न्हय

— बाकीबाब बोरकार

स्वा तं त्र्य दि न वि शे शां क

CELEBRATING GOLDEN JUBILEE OF INDEPENDENCE

Shaping Lifetime Relationships



Bonds that endure the test of time are not made overnight. They take years to develop, and have to be nurtured through rough times. It is a process that is at once demanding and deeply satisfying, as we have come to realise. Nothing gives us more pleasure than a prospering relationship which we helped forge. This we do besides efficiently performing our role as the state's premier catalyst of industrial development, helping from the conception stage to marketing. Because, we realise our two roles are complementary and can co-exist gloriously.

ECONOMIC DEVELOPMENT CORPORATION OF GOA, DAMAN & DIU LTD.

A Government of Goa Financial & Investment Corporation



Corporate Office : EDC House, Dr. A. B. Road, Panaji, Goa 403 001. India. Tel.: (91) 0832 224541 / 44, 227604 / 08, Fax : (91) 0832 224938 Email : edc.pan@rma.sprintrpg.ems.vsnl.net.in

Mumbai Office : 404, Regent Chambers, Nariman Point, 400 021. Tel.: (91) 022 2835229, 2842380. Email : edc.mum@rma.sprintrpg.ems.vsnl.net.in

AN INSTITUTION OF TRUST

जाग

र्ष २५ ◇ आंक १ ◇ ऑगस्ट १९९८

स्वातंत्र्यदिन विशेशांक

संपादपी : रवीन्द्र केळेकार
वांगडी संपादपी : माधवी सरदेसाय
उजवाडावपी : सुमन्त केळेकार
प्रियोळ, म्हाड्डोळ, गोंय.
अक्षर जुळणी : तन्वी ग्राफिक्स,
बी-०४, आषाढ, माडेल, मडगांव.
छापपी : प्रिंटआर्ट ऑफसेट् प्रिंटर्स,
कुंडय इंडस्ट्रियल इस्टेट, कुंडय, गोंय.

ह्या आंकांत

नदर संपादप्याची १
पडसाद ६
'जाग'चीं पंचवीस वर्सां – सुमन्त केळेकार ९
हळदकुकूम (कथा) – सुधा खरंगटे ११
तिरसुवाद बोरकारालो तीर-सुवादीक कॉलम – दिलीप बोरकार १४
कविता – नागेश करमली, नूतन साखरदांडे, राजश्री महाबळेश्वर सैल, आनंद वर्टी १५
इतिहासाचीं पानां १८
साहित्य नियाळ : एका नियाळाचो नियाळ – बाळकृष्ण कानोळकार २०
जाग : वर्स २४ : साहित्य वळेरी २३

वर्सुकी पटी	:	रु. १००/-
विद्यार्थ्यांखातीर	:	रु. ७५/-
तीन वर्सांची पटी	:	रु. २५०/-

चेक वा ड्राफ्ट Jaag Monthly च्या नांवाचो आसचो.
(चेक मडगांव भायले बँकेचो आसल्यार रकमेंत
धा रुपये अदीक जोडचे)

व्हाराचो नामो :
जाग म्हयनाळें
२०१-बी, सालदेल अपार्टमेन्ट्स
फअ द साउदादिश, पाजीफोंड,
मडगांव – गोंय ४०३ ६०१.

एकरकोळ आंकाचें मोल : रु. ९/-

नदर संपादप्याची

पंदरा ऑगस्टाक मन भरून येता खंतीन

आयज पंदरा ऑगस्ट. मन खंतीन भरून आयलां.

प्यारेलालजींचें 'द लास्ट फेझ' घेवन बसलों. पंदरा ऑगस्ट उदेवचो म्हूण जाणें आपणाल्या जिविताचो खिणान खीण खर्चिलो तो त्या दिसा खंय आशिल्लो, कितें करतालो तें सोदूंक लागलों. तो दिल्लींत नाशिल्लो, जंय अख्खें जग खोशयेन आनी उल्हासान नाचतालें. कलकत्त्याक आशिल्लो. बेलियाघाट नांवाचे एके झोंपडपट्टींत 'हैदर मेन्शन' नांवाच्या एका बुरशा घरांत रावन हिन्दू-मुसलमानांनी एकामेकांक दिल्ले घाय पुसतालो.

गांधींच्या मनांत त्या दिसा जीं ल्हारां उसळून आयिल्लीं तांचीं वर्णनां प्यारेलालांनी ह्या पुस्तकांत केल्यांत. मन गळगळून येता तीं वाचतकूच.

सकाळींफुडेंच राजाजी तांकां मेळपाक येतात. राजाजी तांगेले खूब लागशिल्ले एक सांगाती. ते भायर, एक सल्लागार. बंगालचे गवर्नर म्हूण ते कलकत्त्याक आसात. तांकां पळोवन गांधी म्हणटात, 'म्हज्या दोळ्यां मुखारूच हिन्दुस्तान एक वेगळें रूप घेवपाक लागलां... ह्या नव्या हिन्दुस्तानांत म्हाका खंयच सुवात ना, अशेंशें कितें म्हाका हालिंसाराक दिसपाक लागलां...'

गांधींच्या सभावांत एके तरेचें चिडचिडेपण आयिल्ल्याची नोंद प्यारेलालजींनी घेतल्या – जें केन्नाच तांणी तांच्यांत पळोवंक नाशिल्लें. 'सोंसूं नज जालां म्हाका आतां हें जिवीत... देव म्हाका कित्याक घेवन वचना, समजना' असलीं उतरां तांच्या तोंडांतल्यान मदीं मदीं फुट्टात. एका आश्रमी सांगात्याक ते बरयतात, 'म्हजे भोंवतणीं उजो पेटला... म्हजो लासून तो गोबोर करिना हिका देवाची कृपा म्हणची काय अवकृपा, समजना...'

१९४६तूच आपणाले सांगाती आपणा पसून पयस वचपाक लागल्यात म्हणपाची जाणवीक तांकां जावपाक लागिल्ली. हिन्दुस्तानी लोकांच्या हातांत हिन्दुस्तान दिवन वचपाचो बेत इंग्रजांनी केल्लो. 'हिन्दुस्तानी लोकांच्या हातांत' म्हळ्यार 'कोणाच्या हातांत' होच एक प्रस्न सोडोवपाचो उरिल्लो. तो सोडोवपाक इंग्लंडान तीग मुत्सद्द्यांचें एक पथक हिन्दुस्तानांत धाडिल्लें. तिगूय मंत्री आशिल्ले. सगळ्यांकडेन उलोवणीं करून करून – आनी सुमार चारशें पांचशें फुडाऱ्यांच्यो मुलाखती घेवन – ह्या पथकान हिन्दुस्तानाचें विभाजन जावंक दिनासतना काँग्रेस आनी मुस्लीम लीग ह्या दोनूय म्हत्वाच्या पंगडांक संतोस दीत असली एक येवजण आंखून काडिल्ली. देशाचे तीन वांटे करचे, एकांत उत्तर उदेंत वाटार घेवचो, दुसऱ्यांत उत्तर अस्तंत घेवचो (दोनूय मुसलमानी वाटार) आनी तिसऱ्यांत उरिल्लो सगळो भौसंख्य हिन्दू वाटार आसपावन घेवचो; संरक्षण, येरादारी, विदेश वेव्हार असलीं तीन चार खातीं केन्द्राकडेन दिवन उरिल्लो भितरलो कारभार चलोवपाची तिनूय विभागांक स्वायत्तताय (ऑटोनॉमी) दिवची आनी तिनांचोय एक 'महासंघ' करचो – अशी ही येवजण आशिल्ली. काँग्रेस आनी मुस्लीम लीग दोनूय पंगडांनी ती मानून घेतली जाल्यार 'मदल्या काळाचें' एक सरकार घडोवचें आनी ताचे कडेन देश दिवन नवी घटना तयार करपा खातीर एक घटना समिती रोखडीच वेंचून काडची अशें थारायल्लें. काँग्रेस कार्यकारिणींत हे येवजणेचेर भासाभास सुरू जाल्ली. अजून तिणें कसलोच निर्णय घेवंक नाशिल्लो. ते पयलींच मौलाना आझादांनी आपणाक ही येवजण मान्य आसा अशें सांगून ह्या मुत्सद्द्यांक एक चीट बरोवन धाडली. गांधींक ही खबर ह्या मुत्सद्द्यांनीच सांगली तेन्ना तांकां आकांताचो धसको बसलो. 'अब्बा! मौलानांनी आपणाल्या सांगात्यांक सांगी नासतना चीट

बरयली?' गांधींनी मनांत म्हळें आनी चीट मागून घेवन तांणी मौलानांक आपोवंक धाडले.

'क्या आपने कॅबिनेट मिशन को कोई चिठ्ठी लिखी है?' गांधींनी मौलानांक विचारलें.

'नहीं तो!'

'आपने कोई चिठ्ठी नहीं लिखी?'

'नहीं.'

गांधींचें मन खंतीन भरून आयलें. 'मौलाना साहब', तांणी म्हळें, 'आप झूठ बोल रहे हैं', आनी चीट तांकां दाखोवन विचारलें, 'यह चिठ्ठी किसकी है? आपकी नहीं है क्या?'

मौलाना त्या वेळार काँग्रेसचे अध्यक्ष आशिल्ले. तांचो अध्यक्षपदाचो 'टर्म' सोंपतालो. पुणून इंग्रजां कडेन देशाच्या फुडाराची भासाभास चलिल्ली आसतना अध्यक्ष बदलप समा जावचें ना, मौलानांक आनीक एक टर्म दिल्लो बरो, अशें जायत्या जाणांचें मत्त जाल्लें. पुणून मौलानां वयलो गांधींचो विस्वास उडून गेल्लो. तांणी मौलानांक म्हळें, 'आपने बिना किसी को बताये यह चिठ्ठी लिखकर देश को और काँग्रेस को धोखा दिया है.. आप दुबारा काँग्रेस के अध्यक्ष कैसे चुनकर आते हैं, मैं देख लूंगा...'

जवाहरलालूय ह्या वेळार थंय आशिल्ले. मान सकल घालून बशिल्ले. गांधींची आनी मौलानांची आयुष्यांतली ही निमाणी भेट म्हणूंक जाय. ना म्हळ्यार, गांधींच्या निमाण्या उपासाच्या निमाण्या दिसा गांधींक मोसंबींचो रोस दिवपाक तांकां निरुपायान बिर्ला हावसांत वचचें पडिल्लें. लोक घेवन गेल्ले. हो एक आडवाद सोडीत जाल्यार मौलाना ते उपरांत गांधींक मेळपाक केन्नाच वचूंक नात, गांधींनीय तांकां केन्ना मेळपाक आपोवंक नात. स्वराज्य मेळचे पयलींच दोगांयचे संबंद तुटिल्ले.

मौलानांनी आपणाले 'इण्डिया विन्स फ्रीडम' हे आप-जिणेंत ह्या प्रसंगा संबंदान एक उतर काडूंक ना. 'आपणाक दुसरो टर्म मेळचो अशें खूब जाणांक दिसतालें, पुणून काँग्रेसीन दुसऱ्या कोणाक अध्यक्ष करचो अशें थारायल्लें पळोवन आपणें जवाहरलालांचें नांव अध्यक्षपदाखातीर सुचयलें' इतलेंच बरयल्लें मेळटा. प्यारेलालजींनी 'द लास्ट फेझीं'त मौलानांचें नांव घेनासतना ही खबर सांगल्या. फकत सुधीर घोषांनी आपणाल्या 'गांधीज एमिसरी' ह्या पुस्तकांत ती नांवासयत विस्तारान दिल्या.

सुधीर घोष त्या दिसांनी गांधींसरीं आसताले.

जवाहरलालूय ह्याच दिसांनी गांधींपसून पयस गेल्यात —

पुणून, जवाहरलालां संबंदान एक गजाल पयलींच स्पस्ट केल्ली बरी. ते गांधींचे 'शिष्य' केन्नाच नाशिल्ले. फकत तांगेले 'सांगाती' आशिल्ले. ते खादी घालताले 'स्वराज्याची वर्दी' म्हूण. खादी फाटलो विचार तांणी केन्नाच मानून घेवंक नाशिल्लो. गांवांक स्वावलंबी करून गांव वयर काडूंक जाय म्हणपी गांधींची अर्थनितूय ते मानी नाशिल्ले. 'गांव म्हळ्यार बुद्दिचे नदरेन फाटसार वाटार... फाटसार वाटारांत कसलीच उदरगत जावपाची ना' अशें जवाहरलालांचें प्रामाणीक मत्त आशिल्लें. गांधीवाद नांवाची जी एक नदर – अ व्यू ऑफ लाइफ – ते मुस्तींत वयर सरिल्ली, तिचे पसून जवाहरलाल कितलेशेच मैल पयस राविल्ले. आफूड-भश्ट ना करपाच्या गांधींच्या वावरांत तांणी केन्नाच वांटो घेवंक ना. वेगळ्या वेगळ्या धर्मांच्या लोकांक एकठांय हाडून तांचें एक धर्म-कुटूंब तयार करपाच्या गांधींच्या वावराक तांणी केन्ना म्हत्वूय दिवंक ना. धर्म, जाती बी समाजाचीं कुसकीं आंगां शिक्षणाचो प्रसार जातकूच, व्हडले व्हडले कारखाने सुरू जावन लोक शारांनी येवन रावतकूच, लोकांचो 'स्टँडर्ड ऑफ लिविंग' वाडटकूच तीं आपशीं गळून पडटलीं ह्या मत्ताचे ते आशिल्ले.

गांधींचो प्रभाव थोडो भोव दिश्टी पडटा तो तांच्या व्यक्तित्वाचेर. विचारांचेर कसलोच प्रभाव पडूंक ना. पुणून गांधींक ते दसून राविल्ले एकाच कारणाक लागून तांकां हिन्दुस्तान जाता तितले बेगीन स्वतंत्र जाल्लें जाय आ[illegible] आनी देश स्वतंत्र करपाची – एका सप्तका भितर अख्खो देश [illegible] दाखोवपाची, लाखांनी लोकांक त्यागाक आनी बलिदानाक प्रेरणा दि[illegible] एक सामान्यांभायली तांक गांधी सोडून देशांत कोण्णाक ना, आ[illegible] लेगीत ना, हें तांणी पळेल्लें. म्हूण ते गांधीं सरीं राविल्ले.

पुणून आतां स्वातंत्र्य दारां खटखटावपाक लागिल्लें. गांधींची [illegible] तांकां गरज उरूंक नाशिल्ली. ते भायर, गांधींची तांकां आतां आड[illegible] जावपाक लागिल्ली. काँग्रेस विसर्जीत करून तिचें 'लोक सेवा [illegible] रुपांतर करूंक जाय, स्वराज्याच्या मार्गांत मुस्लीम लीग आडखळी [illegible] जाल्यार मुहम्मद अली जिनांच्या हातांत सत्या दिवन उडोवंक [illegible] असलें कितें कितें गांधी उलोवपाक लागिल्ले तें तांकां उस्तऱ्यां गेल[illegible]

जाल्लें अशें —

१६ मे १९४६चे कॅबिनेट मिशनाचे येवजणेक काँग्रेसीन मान्यताय [illegible] तशी मुस्लीम लीगेनूय दिल्ली. वायसरॉय दोनूय पंगडांचें 'मदल्या का[illegible] सरकार घडोवपाक मुखर सरले तेन्ना सरकारांत मुसलमान मंत्री[illegible] आसचे हें मुस्लीम लीग थारायताली, काँग्रेसींतल्या मौलाना आझादां स[illegible] घरभेदी, गळेकापे, घातकी, गद्दार मुसलमानां पंगतीक मुस्लीम लीग [illegible] ना, असलो हट जिना घेवन बसले. वायसरॉयांक सामकें नाका-पुरो [illegible] कितें करचें समजना जालें. अखेरेक बेजार येवन तांणी जवाहरल[illegible] सरकार घडोवपाक सांगलें.

जिनांचें पित्त खवळ्ळें. तांणी कॅबिनेट मिशनाचे येवजणेक दिल्लो[illegible] काडून घेतलो. घटना-समितिचेर बहिश्कार घालो आनी 'डायरेक्ट एक्श[illegible] धमकी दिवन ते 'रस्त्यार आयले'. परिणाम – इतिहासांत केन्नाच [illegible] येवंक नाशिल्ले येदे व्हडले दंगे देशांत सुरू जाले. हिन्दू-मुसलमान-[illegible] एकामेकांच्या जिवार उठले.

नियतीन आपणाली अग्नि-परिक्षा सुरू केल्या काय कितें, अशें [illegible] दिसपाक लागलें. नियतिचें हें आह्वान झेलून ते एका प्रान्तांतल्यान [illegible] प्रान्तांत हिंसेचो उजो पालयत भोंवपाक लागले. एके कडलो उजो पा[illegible] तर दुसरे कडेन उजो पेट घेतालो. तो पालयतासर तिसरे कडेन पेट[illegible] 'हिन्दूंक आनी मुसलमानांक एकठांय रावंक येवंक जाय. ना जाल्यार [illegible] फाळणी चुकोवंक येवपाची ना. ती चुकोवपा खातीर कोणेंच कोणाच्या [illegible] आपणालीं घरां-दारां सोडून दुसरे कडेन वचूंक फावना. जे थंय र[illegible] – रावीत आयल्यात – थंयच रावन तांणी संकश्टांक तोंड दिवंक [illegible] हे तरेची धाडसाची, पराक्रमाची, धिटायेची देख ते लोकांक दीत [illegible] एके कडल्या मुसलमानांनी हिन्दूंक मारचे, हाचो सूड दुसरे कडल्या [illegible] मुसलमानांक मारून घेवचो, ही वाट देश अखंड दवरपाची न्हय, [illegible] विभाजन घडोवन हाडपाचे दिकेन व्हरपी अचूक वाट ही, हे वाटेन नि[illegible] चलूंक जायना म्हणपाचें ते लोकांक समजायत राविल्ले.

फाळणी चुकोवपाचो तांचेकडेन होच एक उपाय आशिल्लो.

तांकां भंय एकेच गजालिचो आशिल्लो –

चल्लां तें हिंसेचें तांडव पळोवन आपणाले सांगाती (जवाह[illegible] वल्लभभाई बी) सट्ट करून निर्शेंत आनी निर्शेवन देशाची फाळणी [illegible] तयार जातीत म्हणपाचो. पाकिस्तान दिलेंना जाल्यार मुस्लीम लीग [illegible] सस्थ बसूंक दिवची ना म्हणपाचें मत्त तांगेल्या कांय सांगत्यांम[illegible] धरूंक लागिल्लें तांणी पळेल्लें. केदेंय मोल दिवचें पडूं विभाजन [illegible] दिवंक जायना अशें म्हणून 'पाकिस्तान नहीं बन सकता, पाकिस्ता[illegible] तो वह मेरी लाश पर बनेगा' अशें ते सांगपाक लागिल्ले.

पुणून परिस्थिती हाता भायर गेल्ली. ती पळोवन सगळ्यांत चड क[illegible] जाले वायसरॉय लॉर्ड वॅवेल. ते कित्याय कितें करपाक लागले. [illegible] इतलो गोंदळ केलो की इंग्लंडच्या प्रधानमंत्रींचेर तांकां आपोवन [illegible]

आयलो. आनी तांचे सुवातेर लॉर्ड माऊंटबॅटनाक नवे वायसरॉय धाडून दिले.

[२]

पाकिस्तान दिवचें पडल्यार पाकिस्तानूय दिवन, पुणून सत्या लोकांच्या दिवन वचपाचो नित्शयूच करून माऊंटबॅटन आयिल्ले. जागच्या जाग्यार र्णय घेवपी आनी सडसडीत पावलां उखलपी एक कर्तुत्वी मनीस म्हूण ची नामनाय आशिल्ली. दिल्लींत पावल दवरिनाफुडें रोखडेच ते सत्या कांच्या हातांत दिवपाच्या कामाक लागले. परिस्थिती समजून घेवपाचो न करता आसतनाच तांणी वल्लभभाई आनी जवाहरलाल दोगांकूय ळ्यांत पयलीं आपणाल्या जाळांत गुठलावन घेतले. दोगांकूय अंतरीम कारांत मुस्लीम लिगेचो खूब कोडू अणभव आयिल्लो. दोगूय तिचेर गल्ले. पाकिस्तान जाल्यार पाकिस्तान दिवन, पुणून जिनांक जाय तेदें य, आमी दितले तेदेंच दिवन उडोवचें आनी 'एक कटकट सासणाची करची' ह्या मत्तार दोगूय पाविल्ले. दोगूय आपणा वटेन आसात म्हणपाचें ळनाफुडें माऊंटबॅटनांनी जिनांक पाकिस्तान दिवपाचें उतर दिलें. पुणून नांक जाय आशिल्लें तें पाकिस्तान न्हय, जिना जाका 'खांपायल्लें नी वायटी लागून बरगेल्लें' म्हणटाले तें पाकिस्तान – पंजाब आनी ाल हांचे दोन कुडके केल्लें. जिना ह्या पाकिस्ताना आड एक एक दो माऊंटबॅटनां मुखार दवरपाक लागले तेन्ना माऊंटबॅटनांनी तांकां ड-उतरांनी सांगलें, 'तुमगेले हे सगळे मुद्दे देशाचे कुडके करपा आड ीत वापरूं येतात, खबर आसा मू तुमकां?... मेळटा तातूंत धादोशी यात.' जिनांनी सगळेंच हातांतलें सुट्टाशें पळोवन 'अर्ध त्यजति पंडित:' न्यायान मेळटा तें मट्ट केलें.

आतां फकत गांधींक आपणा वटेन ओडपाचो प्रस्न माऊंटबॅटनांमुखार रेल्लो. तांकां आपले करून घेतले बगर विभाजनाचो बेत तडीक वचपाची स्तूच नाशिल्ली. गांधी बिहारांत भोंवताले. दंग्यांत दुखाविल्ल्या लोकांचे य पुसपाच्या कामांत गुल्ल आशिल्ले. तांकां तेलेग्राम धाडून 'तुमकां ळपाची इत्सा आशिल्ली' म्हूण कळीत केलें. गांधी रोखडेच येवन मेळ्ळे. यलेच बसकेंत माऊंटबॅनांनी तांकां म्हळें, 'काँग्रेस आनी लीग हांकां मात्तूय डना. अंतरीम सरकारांत लॉर्ड वॅवेलांनी दोनूय पंगडांक एकठांय हाडले रे, पुणून दोनूय एकामेकांचे आतां पांय ओडपाक लागल्यात. अशे तरेन रकार कशें चलतलें?'

'तें सारकें चलपाचेंच ना', गांधींनी म्हळें. 'ते परस तुमी अशें करात. रकारूच बरखास्त करात आनी नवें सरकार घडोवपाक जिनांक चारात...' आपूण उलयतां तो एका राज-पुरुषा कडेन – एका टेट्समनाकडेन – हें कळपाक माऊंटबॅटनाक मात्तूय कळाव लागलो ना. थोड्या वेळान हेवटेनच्यो तेवटेनच्यो खबरी करून जातकूच ाऊंटबॅटनांनी ल्हवूच हिन्दू-मुसलमानांचो प्रस्न सोडोवपाची आपणाली जिनांक खंडीत पाकिस्तान दिवपाची) येवजण तांचे मुखार दवरली.

'च्ये, च्ये, च्ये... पाकिस्तान दिवन हो प्रस्न कसोच सुटपाचो ना... रतो, अदीक घुस्पतलो.' अशी प्रतिक्रिया उकतावन गांधींनी म्हळें, 'तुमची वजण काँग्रेस कशीच मानून घेवपाची ना...'

माऊंटबॅटन मुमुरख्यांनी हांसले आनी हांसून तांणी म्हळें, 'तुमकां घडये बर नासतली, काँग्रेसीन ही येवजण मान्य केल्या. काँग्रेस आयज तुमचे ाटल्यान ना, म्हजे फाटल्यान आसा...'

गांधी शिटकावले. माऊंटबॅटन म्हणटात तें खरें आशिल्लें. काँग्रेस गांधींक ोडून माऊंटबॅटना फाटल्यान गेल्ली. कित्याक, माऊंटबॅटन तिच्या हातांत त्या दिवपाक मुखार सरिल्ले. गांधींकडेन बंदखणिचे तापत्रय सोडून तांकां देवपा सारकें कितेंच नाशिल्लें. आनी बंदखणीक हे सगळे उबगल्ले. सगळे ाणटे जाल्ले. फकत गांधींकूच ही खबर नाशिल्ली.

काँग्रेस वर्कींग कमिटिचे बसकेंत गांधींनी शीण काडून आपणाल्या इतल्या वर्सांच्या ह्या सांगात्यांक म्हळें, 'तुमी म्हाका विचारी-सांगी नासतना येदो व्हडलो हो निर्णय घेतलो हें सारकें जालें ना. जावं, अजुनूय कळाव जावंक ना... गांधी विभाजनाक तयार नात म्हूण वायसरॉयांक वचून सांगात, तांचे आड आमकां वचूंक येवपाचें ना म्हूण सांगात... तुमची वाट सोंपी जातली...' तांणी आनीक एक सांगलें, 'हो प्रस्न तुमकां सोडोवंक येवंक ना. तुमी तो म्हज्या हातांत दियात... हांव सोडोवपाचो यत्न करतां.' इतलें सांगून 'हाचेर कोणाक कितें सांगपाचें आसा व्हय?' असो तांणी वांगड्यांक प्रस्न केलो. कोण कांय उलयना तें पळोवन तांणी म्हळें, 'हांव एक सुचोवणी करतां... तुमी फाळणिचें उतर दिल्लें आसत जाल्यार काँग्रेस आनी मुस्लीम लीग दोनूय पंगडांनी मेळून ती करची, इंग्रजांक मदीं पडूंक दिवचे न्हय... असो निर्णय घेयात.'

इतलें सांगून ते फट्ट करून उठले. 'म्हाका दिसता तें हांवें तुमचे मुखार पोटतिडकेन दवरलां. तुमी विचार करचो... ना जाल्यार, म्हाका सोडून दिवचो.'

गांधी अशे अवचित् वचपाक उठ्ठले अशें कोणाकूच दिसूंक नाशिल्लें. म्हूण, तांकां उठून उबे राविल्ले पळोवन सगळे काचाबूल जाले. अध्यक्षांनी वांगड्यांक विचारलें, 'बापू वॉक-आऊट करून वतात. कितें करपाचें? तांकां वचूंक दिवपाचे?'

कितें करचें, कोणाकूच कांय खबर नाशिल्लें.

ही खबर सांगून प्यारेलाल आपणाल्या पुस्तकांत बरयतात—

त्या काळांत पयस आशिल्ल्या कोणाकडेन भासाभास करपाक दिल्लींत कोणाक वेळ मेळनाशिल्लो हें खरें. सगळें दिल्लींतले दिल्लींत आनी रोखड्या रोखडें थारावचें पडटालें. माऊंटबॅटन हो अधिकार घेवन आयिल्ले... सगळें खरें. पुणून गांधींक विचारले बगर, सांगले बगर काँग्रेसच्या फुडाऱ्यांनी आतां मेरेन खंयचोच म्हत्वाचो निर्णय केन्नाच घेवंक नाशिल्लो, हेंवूय तितलेंच खरें. देशाचे फाळणे सारको म्हत्वाचो निर्णय घेवपा वेळार हांकां कोणाक गांधींचो उगडास जालो ना, तांची बुद्द घेवपाची गरजूय भासली ना ही 'बरोवन दवरपा सारकी गजाल' म्हणपाचें विसरूंक जायना.

प्यारेलाल आनीक एक गजाल सांगतात—

त्या दिसा बापू जड अंतस्कर्णान घरा परतल्यात. खाटेर पडून एकले एकलेच आपणा लागीं उलोवपाक लागल्यात. 'हांव आयज एकलों पडलां. म्हातारपणान तोंतेंलां अशें जवाहरलाल आनी सरदार दोगूय मानपाक लागल्यात... हांचीं सगळ्यांचीं पावलां चुकिचे दिकेन पडटात म्हणपाचें म्हाका स्पस्ट बरें दिश्टी पडटा... फाळणेचें मोल दिवन जोडिल्ले स्वतंत्रतायेचो फुडार काळखान गुपाट भरिल्लो आसतलो, हे विशीं म्हाका इल्लोय दुबाव ना... काय, हांवूच काळखांत पडलां? कशेंय आसूं, **ह्या जाणटेल्याक विभाजनाच्या निर्णयाचे मनस्ताप जाल्ले, ताचो ह्या निर्णयांत मात पसून हात नाशिल्लो, अखेर मेरेन तो फाळणे आड आशिल्लो म्हणपाचें फुडल्या पिळग्यांनी लक्षांत धरचें...**'

गांधी अशे आयुष्यांत केन्नाच एकले एकले बडबडूंक नाशिल्ले.

गांधी 'वॉक आऊट' करून भायर सरिल्ले ते वर्कींग कमिटिचे बसकेंत खान अब्दुल गफार खानूय आशिल्ले. 'आमकां तुमी कोलसुण्यांच्या तोंडांत उडयले' अशें म्हणून ते रडपाक लागले. गांधींनी तांकां समजावन सांगलें, 'आमी दोगूय अहिंसेचे पुजारी... निर्शेनासतना आमी वाट काडूंक जाय... वाट मेळटली, म्हाका खातरी आसा. तुमी पाकिस्तानांत रावपाचें, हांवें हांगा हिन्दुस्तानांत रावपाचें. जी अहिंसा आमकां स्वातंत्र्या मेरेन घेवन आयली ती आमकां मुखावयली वाटूय दाखयतली, विस्वास दवरात...'

गांधी एकटे पडिल्ले. खंतीय जाल्ले. पुणून निर्शेवंक नाशिल्ले. 'वाट मेळटली... वाट हांव सोदतलों' हे श्रद्धेन ते काम करीत रावले.

ह्याच अदमासाक तांणी हिन्दुस्तानी प्रचार सभेची बसका आपयली. राष्ट्रभाषा 'हिन्दी'च आसतली अशें तांचें म्हणणें आशिल्लें. पुणून ही हिन्दी अमृतसर पसून पटण्या मेरेन सरसमान हिन्दू मुसलमानांचे जिबेर घोळटा ती... देवनागरींत बरयल्यार हिन्दी आनी अरबी लिपींत बरयल्यार उर्दू जाताली अशें ते म्हणटाले. हे राष्ट्रभाषेक तांणी 'हिन्दुस्तानी' हेंय एक नवें नांव दिल्लें. हिन्दी आनी उर्दू हीं हिन्दुस्तानीचीं दोन साहित्यीक रुपां – अडेचीं, बनावटी – अशें तांचें मत्त आशिल्लें.

दुर्दैवान हिन्दी उर्दूचो प्रस्न हिन्दू मुसलमानांच्या प्रस्नाकडेन घुस्पल्लो उरिल्ल्यान राष्ट्रभाषेच्या प्रस्नाचो घोळ जाल्लो. बाळासाहेब खेर हिन्दुस्तानी प्रचार सभेचे एक वांगडी. बसका सुरू जायनाफुडें तांणी म्हळें, 'ना ना म्हणटा आसतना पाकिस्तान जालें, पाकिस्तानान आतां उर्दूक आपणाली राष्ट्रभाषा मानली. 'हिन्दुस्तानी'चो आग्रो घेवन बसपांत आतां कितें अर्थ उरला? आमी देवनागरी लिपींतली हिन्दी हीच आमची राष्ट्रभाषा आसतली अशें म्हणुंया...'

हें म्हणणें आयकून गांधींक खुब्ब वायट दिसलें. 'क्यों? देश के टुकडे हुए तो क्या दिल के भी टुकडे हो गये? पाकिस्तान बना तो क्या हुआ? मेरे लिए तो कश्मीर से कन्याकुमारी तक देश एक है... एक देश में दो हुकूमतें चलती हैं...' आनी आपूण हिन्दुस्तानीच घेवन बसतलों अशें म्हळें.

तांच्या म्हणण्याचो अर्थ एकूच जातालो —

फाळणी आमचेर परिस्थितीन लादल्या. काळजान तिका आमी मान्यताय दिवंक जायना. 'एक देश में दो हुकूमतें चलती हैं' अशें मानून सगळ्यांनी चलूंक जाय. गुपाट काळखांत उजवाडाचें हें एक ल्हान-शें कीर्ण आशिल्लें. ह्याच उजवाडान ते फुडली वाट चलपाचे आशिल्ले. पाकिस्तानांतल्यान जे हिन्दू निर्वासीत जावन हिन्दुस्तानांत आयल्यात आनी हिन्दुस्तानांतले जे मुसलमान निर्वासीत जावन पाकिस्तानांत गेल्यात तांकां आपणाल्या गांवांनी आनी घरांनी परते व्हरून बसयले बगर ते सस्थ बसपाचे नाशिल्ले.

[३]

जवाहरलालांचे जिवा-भावाचे इश्ट दोग. एक, मौलाना आझाद. दुसरे, कृष्ण मेनन. दोगांनी तांकां फुलां माळपाचें काम आयुश्यभर केलां. आनी जवाहरलालांनी आपखोशयेन फुलां माळुनूय घेतल्यांत. जवाहरलाल खुशामतीक सोंपेपणान बळी पडटाले अशें खूब जाणांचें म्हणणें आसा. दोगांयनी तांकां 'गांधींचें अवतारकार्य सोंपलां... देशाक तूं दितलो तेंच रूप आतां मेळटलें. तूं लेनिना परसूय व्हड' म्हणपाचें पटोवन दिल्लें. (जवाहरलालांचें संपूर्ण वाड्मय उजवाडा आयलां. तातुंतल्यो तांगेल्यो 'डायऱ्यो' वाचून पळोवच्यो. म्हणटकूच हें म्हणणें खरें दिसतलें.) म्हूण, इंग्रजांकडेन भासाभास चलताली त्या निर्णायक वेळार गांधींक तांणी ल्हवूच कुशीक उडयल्ले. तरी आसतना, अडचणीं वेळार ते मर्दी मर्दी गांधींसरीं वचून बसताले. तांगेली बुद्द घेताले. तांचेकडेन तोडून घेवंक नाशिल्लें. वल्लभभाईंनी तांकां मेळपाचेंच सोडून दिल्लें. 'फकत हवेंतूच उडटात ते. आनी फकत आदर्शांच्योच खबरी सांगतात' अशें म्हणून ते गांधीं पसून पयस गेल्ले. हाका एक कारण जाल्लें —

वल्लभभाईंक आपूण स्वतंत्र भारताचे पयले प्रधानमंत्री जावचे अशें दिसतालें. 'लोकप्रियतेचे नदरेन आपूण आनी जवाहरलाल सारके. पिरायेन आपूण जवाहरलालां परस बारा वर्सांनी व्हड. भारतीय परंपरे प्रमाण प्रधानमंत्रीपदार बसपाचो पयलो हक आपलो' अशें तांचें म्हणणें आशिल्लें. प्रधानमंत्रीपद तांकां 'भोगपाखातीर' जाय आशिल्लें असो हाचो अर्थ न्हय. वल्लभभाई इतले 'ल्हान' केन्नाच नाशिल्ले. पुणून तांगेलें एक मत्त आशिल्लें. ते म्हणटाले, 'देशांत खुब्ब दुर्गूण भरल्यात. ते हुमटावन काडपाचो वावर सगळ्यांत पयलीं कोणेंय तरी हातांत घेवंक जाय. कोण घेत जवाहरलाल? ते सज्जन. हाका वायट दिसतलें, तो दुखावतलो म्हणून ते सगळ्यां कडेन भावूकपणान चलतले. अप्रिय निर्णय केन्नाच नात आनी कडकसाणेन कितेंच करचे नात... तांच्या सभावांतूच हीं नात. आपणा हातांत प्रधानमंत्रीपद आयलें जाल्यार आपूण थोड्याच भितर सगळें जाग्यार हाडून दाखयतलों अशें वल्लभभाईंक दिसतालें

वल्लभभाईंत ही तांक आशिल्ली. सगळ्यांनी ती पळेल्ली.

आपणालें वजन खर्चून गांधींनी आपणाक प्रधानमंत्रीपद मेळोवन अशें तांकां दिसतालें. पुणून, गांधींनी उरफाटें, स्वतंत्र हिन्दुस्तानान अंतरराष्ट्रीय मळार पावल दवरलां, अंतरराष्ट्रीय राजकर्ण आमंचे परस जवाहरलालाक बरें समजता अशें म्हणून जवाहरलालांक तेंको

आपणाचेर जाल्लो हो 'अन्याय' वल्लभभाई केन्नाच विसरले तांणी गांधींक मनांतले लेगीत पुसून उडयल्ले. आचार्य कृपालानींन खबर बरोवन दवरल्या — गांधींक वल्लभभाईं कडेन खंयच्या तरी म्हत एका प्रस्नाचेर उलोवपाचें आसता. ते फोन करूंक प्यारेलालांक सां प्यारेलाल फोन करतात. तांकां जाप मेळटा, 'आज आनी फाल्यां वेळ मेळचो ना... ते खूब कामांत आसात...'

वल्लभभाई बिर्लांक मेळपाक बिर्ला भवनांत येताले. पुणून मेळनासतना भायले भायर वताले. इतले गांधीं पसून ते पयस गेल्ले

गांधीं आड देशांत एक मोड उठिल्लें. 'भंयान कोणेंच आपणा दार सोडून भायर खंयच वचूंक जायना... जो जंय रावन आयला थंयच रावन आगळिकांक बहादुरीन तोंड दिवंक जाय' ह्या गांधींच्या म्हण विपर्यास करून कांय जाण गांधी 'दिल्लींतल्यान पळून गेल्ल्या मुसल परते हाडात, तांकां तांचीं दुकानां, घरां परतीं दियात' अशें म्ह आनी पाकिस्तानांतल्यान पळून आयिल्ल्या हिन्दूंक 'तुमी पाकिस परते वचात' अशें सांगतात' असो प्रचार सुरु केलो. निर्वासितांचेर खूब परिणाम जावपाक लागलो. 'गांधींक जितेच मारूंक जाय' अशें खू निर्वासितांच्या तोंडांतल्यान भायर सरपाक लागलें. तांकां 'संरक्षण' काम घर-मंत्री ह्या नात्यान वल्लभभाईंचें आशिल्लें. नथुराम गोडसे हत्या करपाक दिल्लीक गेला ही खबर मोरारजीभाईंक सांगपाक पुण केतकर नांवाचो एकलो मनीस मुम्बय गेल्लो. मोरारजी वल्लभभाई शिष्य. तांणी आपणाल्या एका पोलीस अधिकाऱ्याक आपोवन के सांगिल्ली खबर सांगली. हाचे भायर कसलेंच पावल उखल्लें ना. संरक्षण दिवपाचें काम जांणी करूंक जाय आशिल्लें तांणी केलें न वयल्यान खूब जाणांक ते मुस्तींत गांधींची हत्या 'जाली' काय दिली' असो प्रस्न पडिल्लो. जयप्रकाश नारायणांनी तर 'हत्या दिली' असो उकतेपणीं वल्लभभाईंचेर आरोपूय केल्लो.

गांधींची हत्या जाल्या त्या दिसा दनपारच्या चारांक वल्लभभाई मेळपाक आयल्यात. 'मेळूंक येयात ना जाल्यार हांव आयुष्यांत तोंड लेगीत पळोवचों ना' असो 'अल्टिमेटम्' धाडून दिल्लो म्हूण आ देशाची फाळणी जाल्ली. लाखांनी लोक मेल्ले. तितलेच घरदार रस्त्यार पडिल्ले. असले हे परिस्थितींत भारत सरकार तरी घटमूट जाय आशिल्लें. तें घटमूट नाशिल्लें. जवाहरलाल आनी वल्लभभाई मजगतीं मोट्यांतले मोटे मतभेद सुरू जाल्ले. दोगांयनी एकठांय एकचारान काम करूंक जाय अशें अख्ख्या देशाक दिसतालें. वल्लभभाई आनी जवाहरलाल हांकांच दिसनाशिल्लें. म्हूण गांधीं पडचें पडिल्लें. तांणी वल्लभभाईंक आपोवन 'एक तर एकचारान करात, ना जाल्यार हांव जवाहरलालांक सरकार सोडून भायर येवंक तुमी देश चलयात' अशें सांगलें. गांधींचो हो एके तरेचो 'अल्टिम आशिल्लो. वल्लभभाईंक ताचो अर्थ बेस बरो कळिल्लो.

ते गांधीं पसून सामकेच पयस गेले.
घरा पावचे पयलींच गांधींची हत्या जाल्ली.

[४]

पंदरा ऑगस्टाक म्हजें मन खंतीन कित्याक भरून येता हें सोदपाक शिल्लों. देशाची फाळणी कोणें केली हाचो सोद घेवंक लागलों. घेतां तां दोन निर्णयांचेर पावलों —

एक, फाळणेक गांधी सोडून सगळ्यांचो हातभार लागला. आनी —

दुसरो, इतिहास फकत व्हड मनीस घडयतात म्हणटात तें खरें न्हय. खूब फावटीं ल्हानांतले ल्हान मनीस कुड्डेपणान तो घडयतात. ताका गळीच एक दिका दिवन उडयतात.

पंदरा ऑगस्टाक मन खंतीन भरून कित्याक येता तें आतां स्पस्ट जालें. खूब मोल दिलें आमी हो दीस उदेल्लो पळोवपाक.

गणेशा, सिद्धी विनायका...

गणपती आर्यांचो देव न्हय. आर्य येवचे पयलीं दुसऱ्यो कितल्योश्यो मनीस कुळयो ह्या देशांत येवन राविल्ल्यो. तांचे मजगतचे एके खंयचे कुळयेचो देव हो.

कृण्वंतु व़िश्वम् आर्यम् – 'अख्ख्या संवसाराक आर्य करून घेवंया' ह्या हावेसान आर्य पेटले आनी आर्य न्हय असल्या सगळ्यांक एके संस्कृतायेंत गुंथून काडपाक भायर सरले तेन्ना तांगेल्या देवांकूय तांणी आपणाल्या देवांत आसपावन घेतले. आनी तेन्ना गणपती आर्यांचोय देव जालो.

गणपतीचें मुदलचें नांव विनायक आशिल्लें. आनी विनायक एक न्हय, तर चार आशिल्ले. आर्यांनी चौगांकूय एक केले. परिणामी – नव्या विनायकाचो सभाव बदल्लो. जो मुदलांत विघ्नां हाडपी देव आशिल्लो तो विघ्नां पयस करपी देव जालो. जावपाचोच. मनीस संस्कारी जायत वता तशे ताचे देवूय संस्कारी जायत वतात.

विघ्नकर्तो विनायक विघ्नहर्तो जातकूच आर्य आपणाले पुजेंत सगळ्यांत पयली ताचीच पुजा करपाक लागले. आयज तो 'सर्वदेवगणांनां ईश: पति: गणपति: गणेश:' जाला.

आयज गणपतीकडेन आमी एक रूपक म्हूण पळेतात. रूपक कित्याचें? बुद्द दिवपी नेत्याचें. विनायक म्हळ्यार 'विशिष्ठो नायक:' लीडर, फुडारी, नेतो. जाका नेतृत्व करपाचें आसा ताका आपणाली मोख (लक्ष्य) कितें तें खबर आसूंक जाय. खंयचे वाटेन गेल्यार ही मोख सादतली आनी लाव (लाभ) जातलो हाचें स्पस्ट ज्ञान आसूंक जाय. 'लक्ष्य' आनी 'लाभ' हीं गणपतीच्या दोगां पुतांचीं नांवां. एकलो 'ऋद्धी' पसून ताका जाल्लो. दुसरो 'सिद्धी' पसून. बुद्द वापरून, सारकें बरें येवजून, मन थीर दवरून कामां करचीं; ताकतिकेन करचीं न्हय, हुर्रर-फुर्रर जावन करचीं न्हय, अशें सांगपी रूपक हें.

ह्या रुपकाचे ते भायर आनीक कांय अर्थ आसात. गणपतीचें वाहन हुंदीर. हुंदीर म्हळ्यार चिकित्साय करपी, फोडणिशी करपी, सगळें वेगळें वेगळें करून नियाळपी 'ऍनालिटिकल' बुद्द. खंयचेय गजालींतलीं बारीक सारीक आंगां लक्षांत आयलीं म्हणटकूच तांतलें म्हत्वाचें आंग खंयचें तें मन पळेता. पुणून, चिकित्साय करून, फोडणिशी करून जोडिल्ल्या ह्या ज्ञानाक बुद्द दसून रावली जाल्यार मनीस एक-आंगीच उरता. बुद्द 'सिंथॅटीक' आसूंक जाय. वेगळेचारांत एकचार पळोवपी, विरोध पयस करून सगळ्यांक एकठांय हाडपी, समन्वयवादी आसूंक जाय. ते खातीर तकली विशाळ आसूंक जाय. हें दाखोवपा खातीर गणपतीक हतयाची तकली लायल्या. सगळ्यांक एकठांय हाडपी आंगांचेर लक्ष केन्द्रीत केलें जाल्यार एकचार वाडटा. खाशेल्या आंगांचेर केन्द्रीत केलें जाल्यार वेगळेचार वाडटा. आमी 'भारतीय' म्हळे म्हणटकूच आमी शंबर कोटी लोक जातात. आमी महाराष्ट्रीय, आमी बंगाली, आमी तमिळ म्हळे म्हणटकूच आमी चार चार वा पांच पांच कोटीच जातात. मागीर ही 'एनालिटिकल' बुद्द आमकां मुखार घेवन वता आनी आमकां तुमी ब्राह्मण, तुमी वैश्य, तुमी आनीक कोण म्हूण सांगता. ब्राह्मणूय मागीर आमी चित्पावन, आमी सारस्वत, आमी दैवज्ञ म्हणपाक लागतात. आनी शंबर कोटिचे आमी कांय लाखूच जावन पडटात. वेगळेपणांत वेगळेपणूच पळोवप हें किरकोळ बुद्दिचें, नेणारपणाचें लक्षण. वेगळेपणांत एकचार पळोवपं हें विशाळ बुद्दिचें, ज्ञानाचें लक्षण.

गणपतीची बुद्द 'सिंथेटिक'. म्हूण ताका 'बुद्धी सागरू'य म्हळा.

गणपतीक एकूच दांत. कित्याक, तो अद्वैतवादी. ते भायर, तो लम्बोदर. मोटेल्या पोटाचो. पुराय ब्रह्मांड ताच्या पोटांत लाडू जाल्लेवरी आसपावलां. गणपतीचें हें रूप आणाल्या काळजांत जो थीर करतलो तोच लोकांचो खरो नेतो, खरो फुडारी – 'गण-पती' जावंक पावतलो.

पुणून, चवथ ही फकत फुडाऱ्यांची परब न्हय. सरसमान लोकांची परब ही. गणपती विघ्नां पयस करपी देव म्हूण सरसमान लोक चवथीक ताची पुजा करीत आयल्यात. तो विघ्नां पयस करतलो ह्या भावार्तान 'निर्विघ्नं कुरू मे देव, सर्व कार्येषु सर्वदा' हे भावनेन करीत आयल्यात.

आमीय हेच भावनेन अंदू ताचेकडेन मागुंया —

'गणेशा, सिद्धी-विनायका, तूं विघ्नां पयस करपी देव. आमचे उदरगतिचे वाटेंतलीं सगळीं विघ्नां पयस कर. सगळ्यांत व्हडलें विघ्न आमचे मुखार आमच्या फुडाऱ्यांच्या रुपान उबें रावलां. हो देश हजार जातिंचो, हजार धर्मपरंपरा चलोवपी, हजार भासो उलोवपी, हजार चालि-रितींत वाडिल्ल्या लोकांचो. आमचें जण एकल्याचें जग वेगळें. आमच्या जगा भायल्या लोकांविशीं आमकां केन्ना आपलेपण दिसलें ना. आमी तांचो सदां दुस्वासूच केला. आमचे फुडारी ह्याच वेगळ्या वेगळ्या जगांतल्यान लोकांनी वेंचून धाडल्यात. देखून, सगळ्यांक आपलोसो दिसचो असलो एकूय फुडारी आयज ह्या देशांत दिश्टी पडना. जात, धर्म, भास, प्रदेश हांचे पेल्यान गेल्लो एकलोय ना. हे फुडारी देश एकठांय दवरूंक पावपाचे नात. पुणून, तांकां आमी दुशण तरी कशे दितले? आमीच तांकां वेंचून दितात. आनी आमी जांकां वेंचून दितात ते सदां आमच्याच पांवड्याचे आसतात. बांयतूच नाशिल्लें उदक कळसुलेंत कशें येतलें? देश एकठांय दवरपाक नेत्याचें व्यक्तित्व गौरीशिखरा येदें उत्तुंग आसूंक जाय. आमच्याच पांवड्याचे लोक येदे व्हड कशे आसतले? देखून **गणेशा, सिद्धी-विनायका, आमचेंच व्यक्तित्व तूं व्हड कर. आमकां 'भारतीय' कर. आमी भारतीय जावचे नात ते मेरेन भारतीय आकाराचें नेतृत्व आमकां मेळपाचें ना.** आमच्यांत तुजी अद्वैत बुद्द जागय. ह्या देशांत जे रावतात ते म्हजे जातिचे नासूं, म्हज्या धर्माचे नासूं, म्हजे भाशेचे नासूं, म्हज्या प्रदेशाचे नासूं, देश म्हजे इतलोच तांचोय बी – म्हजोच एकल्याचो न्हय, सगळ्यांचो – ही भावना आमच्या काळजांत जागय. तूं बुद्धिदातो. आमच्यो संकुचित निष्ठा पयस करून सगळ्या जातिंच्या, धर्मांच्या, भासांच्या लोकां मजगतीं संघशक्ती निर्माण कर. आमचे हस्तुकीं ह्या देशाचें आनीक-आनीक विघटन जावचें ना, आमच्या देशांत आमचे हस्तुकीं मिलिटरिचें राज्य येवंक पावचें ना, हो देश आमी खंयच्याच हुकुमशाहाच्या हातांत दिवचे नात हे तरेची बुद्द तूं आमकां दी. देशाक आमच्या संकश्टांतल्यान वाटायल्यार तूंच एकलो वाटावंक पावतलो. एका व्हड देशाचे खूब ल्हान नागरीक आमी. ह्या देशा फावऽ येदे आमकां कर. आमी तुका आयज शरण येतांत.

ॐ निधीनां त्वा निधिपतिं हवामहे
प्रियां त्वा प्रियपतिं हवामहे
गणांनां त्वा गणपतिं हवामहे... ॐ

तीन वर्सां उपरान्त

ह्या म्हयन्यांत 'जाग' पंचविसाव्या वर्सांत पावल घालता.

तीन वर्सां फाटीं ह्याच म्हयन्यांत 'जाग' चलोवपाची जापसालदारकी हांवें आंगार घेतिल्ली. भियेत भियेत घेतिल्ली. वाचप्यां कडल्यान तीन वर्सांची पटी वांगडाच घेतना तीन वर्सां चलोवंक पावलेंना जाल्यार उरिल्ले पयशे परते दिवप अशें मनांतल्या मनांत थारावन घेतिल्ली. पूण बरोवप्यांचो, वाचप्यांचो आनी जायरातदारांचो पालव मेळत गेल्ल्यान तीन वर्सां बरे बशेन गेलीं – दर म्हयन्याचे २५ तारकेक चुकनासतना 'जाग' पोस्टांत पडत गेलें. म्हयनाळ्याक लागून 'जाग प्रकाशना'च्या उजवाडावपांत दोन नव्या पुस्तकांची ('फुलत्यो कळयो' आनी 'तथागत') भर पडूंक सोंपी जाली.

देखून, तीन वर्सां फाटीं केल्लो तसो संकल्प आयज परतून करतां, अदीक नेटान, अदीक आत्मविस्वासान – मुखावयलीं तीन वर्सांच न्हय, तीन वर्सां उपरान्तूय, तांकता तोंवर 'जाग' जागयत दवरुपाचो.

छापणावळिचो आनी हेर खर्च वाडत आशिल्ल्यान आमी ह्या म्हयन्यासावन 'जागा'ची वर्सुकी पटी वाडयल्या. 'जागा'क अर्थीक मर्यादा आसा. देखून, म्हयनाळ्याचीं पानां वाडोवपाची इत्सा आसुनूय आमी तीं वाडोवंक पावनात. 'जागा'चे पटी भरपी वांगडी वाडले जाल्यार एक वेळ हें जमून घेवं येता. आमच्या दर एका वांगड्यान 'जागा'क एकूच नवो वांगडी जोडून दिलो जाल्यार व्हडलो आधार जावं येता. दोन वर्सां फाटीं आमी वांगड्यांक अशे तरेचीं पत्रां घाल्लीं आनी कांय जाणांनी आमकां नवे वांगडीय जोडून दिल्ले. हे खेपेय आमच्या उल्याक तुमच्यो जापो मेळटल्यो अशी आस्त बाळगितां.

केन्ना केन्ना 'जागा'चे वाचपी आमकां चिटयो बरयतात आनी कामाच्या व्यापाक लागून हांव तांकां जापो दिवंक पावना. हे विशीं म्हाका भोव खंत आसा. हे मुखार अशें घडूंक दिवचें ना म्हूण तुमकां उतर दितां. तुमचे चिटयेक एके वळिची तरी जाप मेळटलीच.

'जाग' तुमकां कशें लागता, कळोवचें. 'जागा'चेर असोच मोग आसचो.

बरें मागून, नमळायेन,

— वावुरपी संपादपी

पडसाद

संपादप्यांक नमस्कार,

जून म्हयन्याच्या 'जागां'त बाय सोनिया डिकोस्ताली 'लुंगी' कथा वाचली. आयच्या धांवत्या, बदलत्या काळांत असले प्रसंग खूब कडेन घडत आसतात. प्रसंग ल्हान खरो, पूण तो ओडलायणे शैलींत आनी वेधक उतरांनी मांडपाचें कसब लेखिकेन दाखयलां.

शिनाप्पाचो लुंगेचेर जीव आसता. लुंगे भितर तो आपणाक शेणोवन बसता आनी निमाणें ताका भोव मोलादीक जावन बशिल्ली ही वस्त शेणटा आनी शिनाप्पा दुखी जाता. मनाच्या खंयच्या तरी एका कोनशांत मूळ धरूंक पाविल्ल्यो ल्हान ल्हान गजाली जायते फावटीं व्हडले व्हडले परिणाम घडोवन हाडूंक पावतात म्हणपाचें ही कथा वाचतना म्हाका होलमलें आनी म्हजेय जिणेंत घडून गेल्ल्या असल्या ल्हान-सान प्रसंगांचो म्हाका उगडास जालो.

कथा, कविता, पिड्डुको, नदर संपादप्याची असलीं सुंदर सुदर सदरां जागांतल्यान आमकां सदांच वाचूंक मेळचीं ही इत्सा.

बरें मागून,

सुहास जोशी
येरवडा, पुणें

जाग जुलै ९८च्या आंकांतलो श्री. माधव बोरकार हांगेलो 'बाकीब… कविता' हो अभिरुचिपुराय लेख भोव आवडलो. कविवृत्तीन शिंपि… ह्या आस्वादक विश्लेशणांतल्यान बाकीबाबांले कवितेंतलें म्हौवें काव्य… भौरंगी गिरेस्तकाय हांचो प्रभावी साक्षात्कार तर घडटाच, खेरीज… लेखकाचे तरल अशे संवेदनक्षमतेचें मनभुलोवणें दर्शनिय घडटा. शैली-त… जाण कवी म्हूण माधवबाबाकडेन आसा ह्यातूंत दुबाव ना. पूण … निरीक्षण आनी यथार्थ विश्लेशण करपी 'समिक्षकी जाण' आसा हें लक्ष… मेजक्याच कवींकडेन ही कळाशी आसता. तांणी अशे तरेचें बरप अ… प्रमाणांत करचें.

— किरण बु…

डसाद

वागत 'तथागता'चें

ेय रवीन्द्र,

तुजो 'तथागत' केन्ना एकदां पुस्तकरुपान वाचूंक मेळटा काय म्हणून ाट पळयतालों. बुद्धाचेर तुवें बरयल्ले लेख खिस्तिंनी 'जागां'त प्रसिद्ध ाताले ते हांव मुजरत वाचतालों. पूण, अशें कुडक्या-कुडक्यांनी वाचप ानी समग्र एकठांय वाचप हातूंत खुबूच फरक आसता. पुस्तक हातांत डनाफुडें रोखडेंच वाचून काडलें. धादोस जालों. आनी हे खोशयेक पाळो देवंचो ह्या हिसपान बरोवंक बसलों, तेन्ना लक्षांत आयलें: तुजें खंयचेंय ारप चिंतनपर आनी अभ्यासपूर्ण आसता. ताचे लागीं पावपाइतलें खोल चेंतन आनी अभ्यास म्हजेकडेन ना; हे जाणेक लागून हांव मात्सो निरशेलों, आनी लेखणी सकयल दवरली! मागीर म्हळें, ना, कशेंय जावं, म्हाका आनी म्हजे सारकेल्या वाचप्यांक ह्या पुस्तकान कितें दिलें, हें उकतावंकच ाय. म्हूण हो आटाप!

पुस्तक वाचता आसतना सगळ्यांत चड मनांत भरता ती तुजी मेकळी, सन्न भास-शैली. गहन विशय सोंपे तरेन कसो समजावचो हें तुजे कडच्यान शेकचें. ह्या ग्रंथांत तर तुवें तुमचो एक इश्ट तुमचे वांगडा, विचारांचें देवप-घेवप करीत खबरी सांगता अशी शैली आपणायल्या. ताका लागून ाचपी निर्मळ उदकांत पेंविल्लेवरी खोशयेंत तरंगत फुडें फुडें वता आनी अखेरेक आज आपणें खूब ज्ञान आनी आनंद जोडलो म्हूण धादोस जावन पुस्तक धांपता.

सुरवेक तूं बुद्धाचे जिणेचेर आनी बुद्धमत्ताचेर बरोवचेली प्रेरणा तुका खंयच्यान मेळ्ळी हें सांगता; ऋषीतुल्य विद्वान भौ. धर्मानन्द कोसंबी हांच्या लघुपाठा' कडसून आरंभ करून तूं बुद्धा संबंधिच्या आजमेरेन सगळे कडेन पातळ्ळेल्या दंतकथांक इतिहासाचो आधार ना हें उकतायता आनी ाग, द्वेष, मोह ह्या सगळ्यांचेर जैत मेळोवन, जिणेंतल्या सगळ्या गंदपासांतल्यान मेकळो जाल्लो, अवैर, शील, अहिंसा, करुणा अशा सात्विक त्त्वांची देख जगाक दिवपी एक 'मनीस' हें बुद्धाचें स्वरूप आमचे मुखार उबें करता.

बुद्धचरितांतले कितलेशे म्हत्वाचे प्रसंग तुवें सामको तन्मय जावन गयल्यात. 'बुद्ध' जाले उपरांत कपिलवस्तूक तो पयलेच खेपे आयलो न्नाचे प्रसंग, तांतले तांतूंत यशोधरेची भेट आनी राहुलाचें बुद्धासरीं वचून दायज' मागप हांचें वर्णन वाचून दोळ्यांत दुकां आयलीं! कारण, जे नेर्विकार, समचित्त वृत्तीन बुद्ध त्या प्रसंगां-सामकार गेलो, ती वृत्ती ुमकां-आमकां सहज साध्य न्हय!

बुद्धाची जीण, ताची देख, ताच्या शिष्य संप्रदायाची वळख, सगळें ुवें पांवड्या-पांवड्यांनी सुसंगीत मांडावळीसयत वर्णिलां. इतलेंच न्हय, ार बुद्धमत्ताचो आपरोस दिवन तें मत जगभर कशें आनी कित्याक लागून ातळ्ळें हें सांगलां, आनी ताचे जन्मभुंयेंतल्यान – भारतांतल्यान – मात ं मत ना जावन गेलें हाची कारणमिमांसाय केल्या. दोन-चार गजालिंनी ाका जे दुबाव आयले, ते हांगा सांगूंक जाय:

पयलो: धर्मानन्दांनी सांगिल्लेप्रमाण, बुद्धाचो बापूय शुद्धोदन एक राजा ाशिल्लो. एक गिरेस्त भाटकार आशिल्लो. हें तूं मानता. कारण, ताचे ाड ताणें कांय सांगूंक ना. पूण फुडें म्हणटा, ''तो राजघराण्यांत जल्माक ायिल्लो, राजघराण्यांतलीं सगलीं सुखां सोडून तो भिक्षू जाल्लो हे जालिचोय लोकांचेर प्रभाव पडिल्लो.'' (पा. १३९)

दुसरो: अशोकाफाटल्यान ताच्या साम्राज्याचो विद्वाट कसो जालो हें सांगतना तूं म्हणटा: ''अशोकाचे गादयेर ताचो पूत कुणाल बसनाफुडें ताचें विघटन सुरू जालें.'' (पा. २१४)

इतिहास सांगता, कुणालाची सावत्र आवय तिश्यरक्षिता हिणें ताचे दोळे काडूंक लायले आनी ताका, ताची बायल – कांचनमालेसयत राज्याभायर धांवडायलो.

अशोका उपरांत ताच्या पुतांमदीं जायतीं झगडीं जालीं आनी अखेरेक अशोकाचे दोन नातू, दशरथ आनी सांप्रती राज्यपदाक पावले. एकल्यान – दशरथान – त्या विशाल साम्राज्याचो पूर्व भाग आपलेकडेन घेतलो आनी दुसऱ्यान पश्चिम भाग घेतलो.

आतां तिसरो दुबाव: बुद्धमत ताचे जल्मभुंयेंतल्यान ना जावचेलीं कारणां—

ह्या विशयाच्यो कितल्योशो बाजू लक्षांत घेवन तुवें ताचो बारिकसाणेन उहापोह केला. आनी अखेरेक तूं अशा निर्णयार पावला की ''खासा बौद्धांनीच तें (बुद्धमत्त) ना केल्लें.''

हे बाबतींत हांवें बऱ्याचशा जाणकारांचीं मतां वाचून पळयलीं.

एकलो म्हणटा:

''The next question arises why inspite of its successes abroad, Buddhism is all but extinct in India. Buddhism flourished to the death of Harsha in 648 A.D. Then for two centuries a black curtain descended. When it was finally lifted, the great Peninsula was unrecognizable. It was dominated by a number of wild, romantic clans, the descendants of invaders of Central Asia. To men whose supreme joys were the hazards of chase and the battle, the doctrine of 'ahimsa' seemed ridiculous. To kill panthers on foot, armed only with a sword, to die on the field of honour fighting against tremendous odds was the only fit life for a Rajput soldier. The temper of these splendid warriors enabled the Hindu priests to effect a counter reformation. They told the listening paladins the tales of Ramchandra and Hanuman, of Bhima, Arjuna and above all Krishna. This last was the Rajput ideal. Renowned alike in love and war, he became the idol of the new rulers of India. Still they were not Hindus and Hinduism did not accept converts. This difficulty was soon overcome. Skilful and learned men drew up genealogies, establishing the descent of the Rajput Ranas from one or the other of the Epic heroes. Thus, in no long time, Hinduism recovered its old supremacy.'' (Charles A. Kincaid)

दुसरो, भारतीय संस्कृतायेचो व्हडलो अभ्यासक, ए. एल्. बाशम (A. L. Basham) बुद्धमत्त भारतांतल्यान ना जावचेलीं वेगळीं वेगळीं कारणां सांगता: हीनयान आनी महायान हांच्यांतलो भेद. मागीर महायान पंथांतूय जाल्ल्यो फाटाफुटी हांचो उल्लेख करून तो म्हणटा:

''At this time the general standards of culture in North India were declining. From the end of the Gupta period onwards, Indian religion became more and more permeated with primitive ideas of sympathetic magic and sexual mysticism, and, Buddhism was much affected by these

developments. A third vehicle, "the vehicle of the Thunderbolt" (Vajrayana) appeared in Eastern India in the 8th century and grew rapidly in Bengal and Bihar."

बौद्धांचेर मिहिरकुला सारक्या हूण राजांनी केल्ल्या अत्याचारांचो आनी बंगालच्या शशाङ्क नांवाच्या शैवपंथीय राजान केल्ल्या छळांचोय परिणाम बुद्धमत्त क्षीण जावपाक कारणीभूत जाला अशें सांगून बाशम म्हणटा:

"... but it is certain that this was not the main cause of the disappearance of Buddhism from India. A more important factor was the revived and reformed Hinduism, which began to spread northwards from the Tamil country from the 9th century onwards, when the great theologian Sankara travelled the length and breadth of India disputing with the Buddhists. ('शंकरदिग्विजया'चो पडसाद?) Behind him he left an organised body of Hindu monks to carry on his work; the new form of devotional Hinduism. (Bhakti cult – भक्तिसंप्रदाय – जाचो उल्लेख तुंवेंय केला), made a very vigorous appeal to the ordinary man and the persistent tendency of Hinduism to assimilate rather than attack, was always at work. (अधोरेखा म्हजी) ... If for a time Buddhism became to all intents and purposes a separate religion, denying the Vedas, the ordinary layman might not see it in that light. For him Buddhism was one of many cults and faiths, by no means mutually exclusive, all of which were respected and worthy of honour. Thus, in medieval India, the Buddha came to be looked on as the ninth of the ten incarnations of the great God Vishnu and Buddhism gradually lost its individuality, became a special and rather unorthodox Hindu sect, which, like many others, did not survive." (A. L. Basham: 'The Wonder that was India'). (अधोरेखा म्हजी)

म्हणजेच, बौद्धांनीच बुद्धमत्ताचो घात केलो असो निष्कर्ष काडप बरोबर न्हय अशें म्हाका दिसता. म्हज्या ह्या मताक रा. चिं. ढेरे ह्या मराठींतल्या व्यासंगी विद्वानाकडच्यान बळ मेळटा:

"... तर असा हा प्रभावशाली बौद्धधर्म भिक्षूंच्या स्खलनामुळें अथवा नव्या प्रभावी धर्मसंप्रदायांच्या उदयामुळें मराठी जनमानसातून पूर्णत: पुसला गेला, असे म्हणणे योग्य होणार नाहीं. या प्रभावाचे पाझर उत्तरकालीन प्रभावी संप्रदायांत कुठेतरी वेगळ्या नामरुपांनी झरत असले पाहिजेत, यात संशय नाही. या परिवर्तित अवशेषांचा शोध घेणे हे एक इतिहासज्ञांना आव्हान आहे. ज्ञानोबा-तुकोबांनी ज्या इंद्रायणीच्या प्रवाहातून वैश्विक करुणेचा महापूर महाराष्ट्रभर पसरविला, त्या इंद्रायणीचा उगम तथागताच्या करुणामय जीवितातून स्फूर्ती घेणाऱ्या असंख्य भिक्षूंच्या निवासभूमीत झालेला आहे, हे सत्य सहजी डावलता येण्यासारखे नाहीं. अर्थातच ज्ञानदेवपूर्व बौद्धसमाज "बौद्ध" या नावाने जरी नाहींसा झाल्याचे दिसत असले, तरी तो अन्य लोकप्रिय संप्रदायांत लय पावला असला पाहिजे असें मानावें लागतें." (रा. चिं. ढेरे: विठ्ठल, एक महासमन्वय).

हांगा म्हाका परत एक दुबाव येता: ज्ञानेश्वरीच्या पयल्या अध्यायांत ॐकाराचें श्रीगणेश रुपकांत स्वरूप वर्णितना ज्ञानेश्वर महाराज म्हणटात:

एके हाती दंतु। जो सभावता खंडितु तो बौद्धमत संकेतु। वार्तिकांचा ॥१२॥

हांचें सोनोपंत दांडेकरांनी अशें विवेचन केलां:

"बौद्धमत्ताचें निदर्शन करणाऱ्या बौद्ध वार्तिकांनी प्रतिपादलेलें बौद्धमत्त, हाच कोणी स्वभावत: खंडित असेला दांत, तो पातंजलदर्शरूपी एका हातांत धरलेला आहे." ते फुडें तेरावे ओवये संबंधीं म्हणटात: "मग (बौ[...] शून्यवादाचे खंडन झाल्यावर) सहजच येणारा सांख्यांचा सत्कारवा[...] (गणपतीचा) वर देणारा कमलासारखा हात होय..."

ह्या दोन ओवयांचें म्हाका चड अजाप दिसपाक कारण, ज्ञानेश्व[...] "भाष्यकारांतें वाट पुसतु" अशें सांगता, त्या आदि-शंकराचार्यां[...] बुद्धाक "य आस्ते कलो योगिनां चक्रवर्ती" अशें म्हळां आनी फुडें स[...] "सबुद्धः प्रबुद्धोऽस्तु निश्चित्तवर्ती."

तुवें हे संबंधीं आपलो विचार कळोवचो/बरोवचो.

आनीक एक मुद्दो: "मूर्तिपूजा बौद्धांनी हाडली. ती पयलीं नाशि[...] हिन्दुधर्म हजार दोन हजार वर्सां मुर्तीबगर चल्ला" अशें तुजें मत. [...] आनी गांधार शैलींतल्यो बौद्धमुर्ती सोबीत आनी प्रगत शिल्पकलेचो [...] म्हणून नांवाजतात हें खरें; पूण ताचेवयल्यान मूर्तिपूजा ही बौद्धांच[...] म्हूण मानप कठीण. कारण, कसल्यातरी दृश्य, स्थूल वस्तुचेर देव[...] आरोप करून ताचेर श्रद्धा दवरप हें आदिम मानवापासून चलत अ[...] जाका 'टोटेम' म्हणटात ते फातर वो लाकडाचे चित्र-विचित्र खांबे हज[...] वर्सां आदींय आशिल्ले असो पुरावो मेळटा. परमेश्वर निर्गुण, नि[...] आसा हें थोड्याश्याच प्रबुद्ध लोकांक आकलन जाता. जनसाधारणाक [...] स्थूल, दृश्य वस्तू आपली श्रद्धा दवरपाक (हुमकळावपाक खुंटयाळें म्हण[...] लागता; दुसरें, आपलो गुरू वा आपणाक फुडें काडपी नायक, प[...] किंवा आदर्श पुरूष (हिरो), राजा, इत्यादिकांक ते आसतना – [...] चड करून ते ह्या जगांतल्यान गले उपरांत – देवत्वाक किंवा विभूतिम[...] चडवप (Apotheosis), तांची तुस्त, पुजा-प्रार्थना करप ही जनसाधार[...] सैमिक प्रवृत्ति! म्हणूनच आपणाक साद्या मनशासारको 'मनीस' [...] समजुपी, यज्ञयाग, कर्मकांडां आड आशिल्लो आनी लोकांक तशें स[...] भगवान बुद्ध – ताकाच ताच्या अनुयायांनी 'देव' केलो, Icon [...] ताच्या अवशेषांचेर चैत्य, स्तूप बांदले!

तुजी कोंकणी भास-शैली नितळ, मेकळी हें हांवें आदीं म्हळांच. ति[...] खोड काडूंक जागो नासता. खंयूय एखादो शब्दप्रयोग खटकता. [...] 'महापरिनिर्वाण' ह्या प्रकरणांत आपूण जाणटो जालां म्हणपाची जा[...] जातकूच "रोखडीच ताणें (बुद्धान) सारवासारव केली अशें तूं ब[...] सारवासारव हो शब्दप्रयोग, आपूण कितेंय चुकिचें उलयलों, तशें [...] कितेंय केलें जाल्यार तें कशें तरी 'पासून' व्हरपाक जें करतात [...] वापरतात. जिणेचे अखेरेक मनांतलें सांगप, कितेंय दाळाक घालचें [...] जाल्यार ताची उकतावणी करप, हाका 'निरवानिरव' म्हणटात. [...] बारिकसाण केल्या म्हणून तूं म्हजेर रागार जावंचोना अशी म्हाका [...] आसा. निमाणें इतलेंच म्हणटां:

"बुद्धाचें जिवीत आनी तागेलो उपदेस कोणाकूय रुचचो, पटचो [...] स्पस्ट आनी सरळ करून सांगलां" हें जें तुवें धर्मानन्दांविशीं [...] (पा. ११) तें तंतोतंत तुज्या 'तथागता'क लागू पडटा. खरेंच, [...] भोव सोबीत आनी भांगरापरस मोलादीक सरपळी कोंकणी साहित्य-दे[...] गळ्यांत घाल्या हातूंत मातूय दुबाव ना!

हो आस्वाद लेख सोंपोवचे पयलीं एक गजाल मुजरत सांगूंक [...] पुस्तकावयलें दिलीप धामस्कारान काडिल्लें मुखचित्र तोखणाय करपा[...] सुयोग्य बुद्धप्रतिमा, ह्या भव्योदात्त विषयाक सोबसारके रंग आनी [...] म्हणजे चित्राच्या माथ्यार सूचक अशीं अश्वथ्याचीं पानां! चित्र[...] मनापासून अभिनंदन.

— भोलानाथ अडवलपा[...]

जागा'चीं पंचवीस वर्सां

सुमन्त केळेकार

'जाग' नेमाळें पंचवीस वर्सांचें जालें. मनशाच्या जिवितांत पंचवीस वर्सां हो तरणायेचो काळ आसता. जिविताक रूप, आकार हाडपी काळ. नेमाळ्याचें तशें ना. तें जाय जाल्यार सदांच तरनाटें. जल्माक येत सावन जिवीत सोंपयसर. कोंकणी साहित्यीक मळार जायतीं नेमाळीं उदेलीं, उदेतात. पूण कांय जाणांची जीण बेगीन सोंपता जाल्यार कांय एका वायटाकारावरी तंतुणावयली जीण सारिल्लेवरी दिसतात. हो अणभव कोंकणी साहित्याकच लागू जायना. संवसारांतल्या पुराय भाशांमदीं ही तरा दिसून येता.

'जाग' नेमाळ्याच्या रुपान उदेलें तें १९७४ वर्सा. दिवाळेचो वर्सुकी आंक उजवाडावन ताणें बुनयादिचो फातर बसयलो. 'जाग' हे संस्थेची स्थापना तशी पळोवंक गेल्यार १९७१ वर्सा, कसलोच गडगड नासतना मोन्यानी जाल्ली. कोंकणी चळवळीक तेंको दिवन साहित्यीक कार्याक नेट दिवपाखातीर कोंकणी मळावयले आमी एक दोग वावुरपी फुडें सरून तांणी जाग प्रकाशनाचें पयलेंच पुस्तक उजवाडा हाडिल्लें. तो आशिल्लो एक प्रतिनिधीक कथा संग्रह – 'प्रसादाफूल'. उपरान्त एका फाटल्यान एक अशीं – रोखड्या रोखडीं नासलीं तरी स म्हयने-वर्साच्या अंतरान पुस्तकां भायर सरूंक लागलीं. पुस्तकां संबंदान आमचे मुखार एक संकल्प आशिल्लो तो असो. कोंकणी हो फकत 'वाद' करून सोडोवपाचो प्रस्न न्हय; साहित्यीक कार्य करुनच हो वाद सोपोवंक जाय, मिटोवंक जाय. आनी ते खातीर जाता तितले प्रयत्न करून येत्या त्या धा वर्सां भितर उण्यांत उणीं शंबर कोंकणी पुस्तकां उजवाडा हाडपाचें काम आमी करूंक जाय. 'जागा'चो जल्म जालोच एक म्हत्वाचें आनी ध्येयनिश्ठ उद्दिश्ट दोळ्यां सामकार दवरून.

पुस्तकां उजवाडा हाडपाचें काम चलता आसतनाच, 'जाग' म्हयनाळ्याचो विचार तकलेंत घोळूंक लागलो. 'जाग' ७४च्या दिवाळी आंकांत दोन नाटकां छापून आयिल्लीं. एक, बाकीबाबान अणकारीत केल्लें 'संशयकल्लोळ' आनी दुसरें पांडुरंग भांगी हांणी अणकारिल्लें ऑस्कर व्हायल्डचें 'सालोमे'. आंकांत उजवाडा आयिल्ल्या ह्या दोनूय नाटकांचो कंपोज वापरून तांची वेगळी छपाई केल्ली आनी आमच्या प्रकाशनाचीं दोन पुस्तकां तयार जालीं. ही कल्पना आमकां पुस्तकां तयार करपाचे नदरेन खूब उपकरा पडली. ते भायर तांचें मोलय जाता तितलें उणें दवरप शक्य जालें. हो प्रयोग आमी ७-८ वर्सां चलयलो. १९७४ ते १९८२ मेरेन आमचें नेमाळ्याचें काम पुण्यांत आनंद प्रेसांत चलतालें. प्रेसाचो धनी य. गो. जोशी हेय साहित्य-मोगी जाल्ल्यान तांणी आमकां ह्या कामांत खुबच हातभार लायलो. आयचे पयशे फाल्यां दिले जाल्यार हूं आनी चूं करिनासले. एका मराठी मनशान कोंकणीच्या साहित्यीक कार्याक दिल्लो हो पालव आमी केन्नाच विसरचे नात.

१९७४ आनी १९७५ ह्या दोन वर्सांत आमी भिस्त दवरली ती दिवाळी आंकांचेरच. १९७६ वर्सा कितें जालें कोण जाणा, पूण नोव्हेंबर म्हयन्यांत दिवाळी आंक भायर काडनाफुडें हे फुडें म्हयनाळ्याच्या रुपान 'जाग' भायर सरूंक जाय अशें रवीन्द्राक दिसलें. एक तर दिवाळी आंकांतल्या संपादपी लेखाक तितलेंशें म्हत्व नाशिल्ल्यान, विचारांचें मंथन जाले बगर कोंकणीक उजळ सरूप हाडप शक्य ना, अशें दिशिल्ल्यान जावंये, रवीन्द्रान आपूण जावन म्हयनाळ्याची जापसालदारकी घेतली आनी संपादनाचें काम सुरू जालें. छापणावळ पुण्यांतच दवरली. आनंद प्रेसांत फाटल्या ४ वर्सांत कंपोजाचें काम चलिल्ल्यान थंयचे कंपोजिटर कोंकणी बरे भशेन कंपोज करताले. थंयच म्हयनाळ्याचें काम चलोवपाचें आमी थारायलें. डिसेंबर १९७६ पासून सुरू जाल्लें हें 'जाग' म्हयनाळें जून १९७८ मेरेन चल्लें. म्हयन्यामाल पुण्यांत वचून प्रुफां तपासप आनी आंक छापून हाडप म्हळ्यार खुबच तकालस जाताली. पुण्यांत दोन दिसांत काम जातालें तें गोंयांत जावं गोंयाभायर बेळगांवां बी जावप केन्नाच शक्य नाशिल्लें. देखून अखेरेक आमी निर्णय घेतलो आनी तें बंद केलें. उपरान्त 'जाग' चलूंक लागलें तें 'दिवाळी' आंकाच्या सरुपांत. १९८२तलो दिवाळी आंक आमी पुण्यांत छापलो तो निमाणो. उपरान्त १९८३ सावन दिवाळी आंकांचें काम आमी बेळगांवां दिवंक लागले. रवी प्रेसांत कोंकणीचें काम खूब चलिल्ल्यान थंयचे कंपोजिटर कोंकणी बरे भशेन कंपोज करताले. रवी प्रेसान आमचीं कांय पुस्तकांय छापलीं. आनी अजुनय थंय थोडें थोडें आमचें काम चलिल्लें आसता.

दिवाळी १९८९चो आंक नोव्हेंबरांत उजवाडा आयलो – आनी हे खेपे म्हाकाच दिसूंक लागलें की 'जागा'क परतें म्हयनाळें करपाची खूब गरज आसा. 'जाग' हें खऱ्या अर्थान जाग हाडपी नेमाळें जावंक जाय. ललीत साहित्याक तातूंत म्हत्वाची सुवात आसतलीच; पूण ताचेच वांगडा विचार-क्रांतिचो तातूंत आस्पाव आसूंक जाय. कोंकणी भास म्हळ्यार विचारीक क्रांत अशें समीकरण जावंक जाय. बुरशेल्ल्या, अविज्ञानीक, असमाजीक विचारांक कोंकणीन थारो दिवंक जायना. कोंकणी म्हळ्यार नवो, प्रगत विचार अशी तिची व्याख्या आसूंक जाय. आनी हें काम 'जागा'न आतां आंगार घेवन फुडें व्हरूंक जाय. जागान साहित्यांत एक नवी परंपरा – नवें दायज घडोवपाची काळाची गरज भागोवपाचें काम करूंक जाय. आमचे मुखार सगळेच प्रस्न आशिल्ले. म्हत्वाचो म्हळ्यार पयसो. जायरातीं खातीर यत्न चलतालेच. पूण हे फावट पटयेकारांचो आंकडो वाडोवन निदान पांचशें तरी नेमान पटी दिवपी मेळटले हे खातीर जायते यत्न केले. पूण आंकडो ३०० वयर गेलोच ना. वर्सुकी मोल जाता तितलें उणें दवररिल्लें. सरसमान मनशाक पटयेकार जावपाक अडचण येवची न्हय; पटयेकारांचो आंकडो वाडत वचून, तांच्याच पालवाचेर हें म्हयनाळें चलोवपाचो हो एक प्रयत्न आशिल्लो.

नोकरेंतलो हांव मुक्त जाल्ल्यान म्हजेलागीं वेळाचो प्रस्न नाशिल्लो. ताका लागून 'जागा' खातीर म्हयन्यांतले ४-५ दीस दिवपाक म्हाका अडचण नाशिल्ली. ताचो लाव घेवन डिसेंबर १९८९ सावन मार्च १९९५ मेरेन हांवें म्हजे नदरे खाला 'जाग' उजवाडावपाचें काम खंड पडूंक दिनासतना चलयलें.

अशे भशेन एप्रील १९८९ सावन सुरू जाल्लें जाग म्हयनाळें आयज आठ वर्सां सोंपलीं, अखंडपणान चलत आसा. कोंकणी म्हयनाळ्याच्या इतिहासांत 'जागा'न मानाची सुवात जोडिल्ली आसा हें हांवें सांगपाची गरज ना. मार्च १९९५त वावुरपी संपादप्याचे जापसालदारकेंतल्यान हांवें मुक्त जावपाचें थारायलें आनी म्हजी सुवात नव्या दमाच्या, हून रगताच्या, कोंकणीक ओंपून घेतिल्ले कोणेंय तरी व्यक्तीन घेतल्यार ती आमचो वारसो प्रतिश्टेन चलोवंक पावतली अशें येवजून तें काम बाय माधवी सरदेसाय हिचे लागीं सोंपयलें. येवजिल्लें ताचे परसय अदीक सरसपणान आनी पोटतिडकेन ती जागाचो वावर चलयत आसा हाची आमकां खोस भोगता.

आतां 'जागा'चे हे पंचवीस वर्सांचे वाटचालींत ताणें कोंकणी साहित्यांत कितली भर घाली, तशेंच नव्या विचारांच्या, नव्या दमाच्या कितल्या लेखकांक वाचकां मुखार हाडले हाचो परामस घेवपाची खुबच गरज आसा. नेमाळें उजवाडा हाडलें इतल्यान भागना, ताचो प्रभाव वाचक-समुदायाचेर कितल्या प्रमाणांत पडलो ताचोय अदमास घेवप गरजेचें थारता.

'जागा'च्या दिवाळी आंकांनी सगळ्या पतिंचें मोलादीक साहित्य आस्पावल्लें दिसता. जाग प्रकाशनान उजवाडा हाडिल्लीं गाजिल्लीं पुस्तकां ह्याच आंकांनी पयल्या फाराक उजवाडा आयलीं. अच्छेव जावं कार्मेलीन सारक्यो नवलकाणयो जागाच्या दिवाळी आंकांतल्यानच लोकांनी पयलीं वाचिल्ल्यो. नाटकां जावं एकांकी खेळ जाल्यार तातूंत सुमाराभायर दिसतात. देखीक संशयकल्लोळ, सालोमे, मुक्ती, स्मगलर, लालाबाला, सुरींग, यात्रीक, अदलाबदल, कोण जिखलो, कालिगुला (पुस्तकरुपान येवपाचें आसा),

चारूदत्त बी. सूड, मोनी व्यथा सारक्यो नवलिका, कथाशिल्पांतले समिक्षा करपी लेख, गोंयची अस्मिताय उकतावपी अना म्हांबऱ्याले विडंबनात्मक लेख, काशिनाथ, वणटी, कुलकुलाट सारक्यो अणकारीत नवलिका, बनवड, वास्कोयान, पिसोळीं, सांवार हे कविता-संग्रह, पापडां कवळ्यो, मदलो पूत, रामग्याली वागा भोंवडी हीं बाल-साहित्यांतलीं पुस्तकां, नखेत्रांची कथांच्या माध्यमांतल्यान वळख करून दिवपी ब्रह्मांडांतलें तांडव हीं पुस्तकां आनी अशें जायतें तोलामोलाचें साहित्य ह्या आंकांनी तुडुंब भरिल्लें वाचूंक मेळटा. विश्वकवी टागोरांच्या साधनेंतल्या लेखांचे अणकार पयलीं जागांतच उजवाडा आयले. हालींच 'साधना' हें पुस्तक साहित्य अकादमीन उजवाडा हाडिल्लें आसा. जागाचे दिवाळी आंक म्हळ्यार दिवाळेचो फळार कसो. खाता तितलो खायन दिसता असो. आनी लेखक तरी कितले नांवाजते. बाकीबाब, लक्ष्मणराव, मनोहरराय, अना म्हांबरो, चंद्रकान्त केणी, पुंडलीक नायक, रवीन्द्र केळेकार, शिला कोळंबकार, मीनाबाय काकोडकार, दामोदर मावजो अशे एकापरस एक खांपे लेखक. तांचे जोडीक दुसऱ्या लेखकांचीं नांवां घेवपाचीं तीं म्हळ्यार जयमाला दणायत, देविदास बाबय, डॉ. तानाजी हळर्णकार, गजानन जोग, अरूण सिंगबाळ, प्रकाश थळी, मनोहर पै धुंगट, माधवी सरदेसाय, जयंती नायक, नरेन्द्र कामत, ज्योती कुंकळकार, उदय देशप्रभू, सुमन सामंत, मधुसूदन जोशी, एस्. डी. तेंडुलकार, एन्. शिवदास आनी हेर जायते...

कवितेच्या दालनांत जाल्यार कितल्याशा कविंनी हाजेरी लायिल्ली दिश्टी पडटा. बाकीबाब, मनोहरबाब, शंकर रामाणी, पांडुरंग भांगी, र. वि. पंडित, चा. फ्रा. द कोश्ता, जे. बी. मोरायस हे शिरोमणी; ते भायर नव्या आनी तरण्या कविंच्या भिऱ्यांत झळकतात तीं नांवां पळेल्यारच आमचें कवितेचें दालन केदें गिरेस्त आसा ताचो अदमास येता. रमेश वेळुस्कार, माधव बोरकार, नागेश करमली, नूतन साखरदांडे, युसुफ शेख, शशिकांत पुनाजी, निलबा खांडेकार, सुदेश लोटलीकार, आर. रामनाथ, सत्यवान नायक, परेश कामत, सोनिया शाह, प्रकाश पाडगांवकार, रवीन्द्र म्हाड्डोळकार, विजयकुमार कामत, अभयकुमार वेलींगकार, तेनसिंग रुद्रिगीश, विजयाबाय सरमळकार, रमेश घ. लाड, शरतचंद्र शेणै अशीं जायतीं नांवां घेवंक येतीत.

वर्सुकी साहित्यीक आंकांचो सराव घेवन जालो. जाग म्हयनाळ्याचो नियाळ करतलो जाल्यार ह्या म्हयनाळ्याच्या खाशेलेपणांकडेन नदर भोंवडावची पडटली. डिसेंबर १९७६ सावन जून १९७८ मेरेन उजवाडा आयिल्ल्या म्हयनाळ्यांत खाशेलीं अशीं सदरां दिसनात. सदरां आसलींय जाल्यार तीं विस्कळीत. 'नदर संपादप्याची' हें एक सदर सोडलें जाल्यार बाकिचो मजकूर मेळटा तसो, मेळटा थंय रिगयला अशें दिसपाक लागता. एक काणी जावं खंयचोय ललीत लेख आसुंकच जाय असो खंयचेकडेन दंडक दिसना. पद्याचीय तीच गत. आंकांत कितल्यो कविता घालपाच्यो ताची थारावणी ना. मेळ्ळ्यो तशो घाल्यो, अशें शें दिसता. पूण ही गजाल एप्रील ८९ सावन आयजमेरेन म्हयन्यामाल उजवाडा आयिल्ल्या म्हयनाळ्यांनी दिसना. ह्या म्हयनाळ्यांक रूप आसा, तांतल्या साहित्याक सयसुवाद आसा. तातूंत सदरांची माणणी आसा. आनी सगळ्यांत म्हत्वाची गजाल म्हळ्यार तांतलें लेखन गोंयच्या सरकारान मान्य केल्ल्या नेमांक धरून बरयल्लें आसा.

आयच्या म्हयनाळ्यांतलें सगळ्यांत म्हत्वाचें सदर म्हळ्यार 'नदर संपादप्याची'. हें सदर गोंयच्या, पर्यायान देशांतल्या, गरजेचे दिसल्यार संवसारांतल्या राजकी, समाजीक, अर्थीक, धर्मीक, संस्कृतीक, खंयच्या ना म्हण ना, प्रस्नांचेर खोलायेन विवेचन करता. खंयच्याय वाचकाक जाणकारिचे नदरेन कितेंच उणें पडचेंना हाची सोय करपी हें सदर. हाका म्हयनाळ्याचे नदरेन एक आगळेंच म्हत्व आसा. हें सदर उणेंपुरें ३-४ पानांचें आसता. आनी तांतूंत विंगडविंगड विशय चर्चिल्ले आसतात. एप्रील १९८९ सावन एक्कासारकीं स वर्सां चलत आयिल्ल्या आंकांचें सरूप थोडेंभोव वेगळें आशिल्लें. आयच्या म्हयनाळ्यांत कांय बदल दिसता तो नव्या विचारा[illegible] परिणामाक लागून जावंये. पूण स वर्सां चलिल्ल्या आंकांनी 'विचारध[illegible]' दिताले. खूब म्हत्वाचो विचार आनी ताचेवयलें भाश्य. रवीन्द्रवाणी, कबीर[illegible] वरीच भारतांतल्या जायत्या गाजिल्ल्या विचार प्रणालींचेर भाश्य के[illegible] मजकूर तातूंत आसतालो. चिटयां-वेव्हार उजवाडा येतालो – आनी [illegible] उपरान्त एक काणी, नाजाल्यार एक एकांकी खेळ जावं खेळाचो [illegible] आसतालो. ते भायर एक निबंध जावं एक विचारीक लेख आसताल[illegible] पद्य सरुपांतलें साहित्य कांय कवितांच्या रुपान वाचप्यांमुखार येता[illegible] 'इतिहासाचीं पानां' आनी साहित्य-नियाळ हीं दोन सदरां मात न[illegible] दाखोवपी सदरां म्हळ्यार जाता. तीं सदरां चुकनासतां अजून मेरेन च[illegible] आयल्यांत. कोंकणी नव्या साहित्यांतल्या दर एका पुस्तकाचो नियाळ [illegible] एका आंकांत येवप म्हळ्यार समिक्षा साहित्यांत कितली मोलाची भर पडि[illegible] आसा हाचो अदमास करूं येता. आजवेर उजवाडा आयिल[illegible] पुस्तक-नियाळांचो आंकडो शंबराच्या घरांत पावले बगर रावचोना.

'इतिहासाचीं पानां' हें सदर म्हळ्यार कोंकणीचें संसोदन करपी खंयचा[illegible] अभ्यासकाक तयार दवरिल्लो गरजेच्या वस्तुंचो भाणोस. कोंकण[illegible] अभ्यासकाक उपकरपी अशी म्हत्वाची जाणकारी. हें म्हत्वाचें आनी ग[illegible] सदर दवरून 'जागा'न मोलाचें कार्य केल्लें आसा.

एका काळार घोंसार आशिल्ले, कोंकणींत नामना मेळोवंक पाविल्ले ले[illegible] आज थकिल्ले दिसतात. खूब वर्सांचो काळ लोटला. कोंकणीक मा[illegible] सुवात मेळोवन दिवपाखातीर [illegible]लिल्लें झूज आज सोंपलां. तरी ताची [illegible] तकलेंतल्यान अजून ना जावंक ना. पयरचीच गजाल जाल्लेवरी [illegible] ती मनांत परती परती उबी रावता. आनी आमच्या वोंठार तींच तींच लेख[illegible] नांवां येवंक लागतात. तरी आमी विसरूंक फावना, नवो काळ जल[illegible] येता तशे नवे लेखक, नवे कवी पर्जळूंक लागतात. आज ते पर्जळूंक लागल[illegible] महाबळेश्वर सैलां सारको, पिरायेन तरनाटो नासलो तरी विचारान त[illegible] मनाचो लेखक आयज कोंकणी कथेची नाडी निटायेर दवरपाचें काम क[illegible] लागला. प्रकाश पर्येकार, सुरेश पिळर्णकार, पूर्णानंद च्यारी, एडविना डि[illegible] सारके तरनाटे कथाकार कथेच्या मळार आपणालें खाशेलेपण दाख[illegible] लागल्यात. दत्ता नायक, किरण बुडकुले, मुकेश थळी सारके साहित[illegible] आपणाल्या विशयांत कर्तुत्व दाखोवंक लागल्यात. राजय पवार सारको [illegible] काव्याच्या क्षेत्रांत अजापीत करपी शैली उपकरावंक लागला. को[illegible] साहित्य-मळार जायतीं परिवर्तनां जावंक लागल्यांत. नवीं तोंडां [illegible] लागल्यांत. रवीन्द्र केळेकार, चंद्रकान्त केणी सारके कांय म्हालगडे [illegible] वगळले जाल्यार हेरांचो नेट तितलोसो उरूंक ना.

जागाचें सरूपय पयलीं सारकें उरूंक ना. तीन वर्सां पयलीं ताची छापण[illegible] लेटर प्रिन्टींग प्रेसांत जाताली. आयज तो आंक गोंयच्या गोंयांतच ऑफस[illegible] तयार जाता. पयलीं दर आंक म्हयन्याच्या थरिल्या दिसा भायर सरता[illegible] अशें नाशिल्लें. आज एक दीस जो थरिल्लो आसा त्याच दिसा आंक पोंच[illegible] पडटा. खूब परिवर्तनां जाल्यांत आनी जायत आसात. इतलें आसुनय को[illegible] वाचकांचो आंकडो जितलो वाडूंक जाय आशिल्लो तितलो वाडूंक [illegible] एकच खंत भोगता.

कोंकणीचीं पाळां मुळां आतां घट जाल्लीं आसात. इंग्लेज भाशेचे[illegible] शाळांतल्या हुंबऱ्यां भितर धुडगूस घालूंक लागलां अशें चित्र जरी [illegible] आमकां दिसता आसलें तरी ताचो धसको धरपाचें कारण ना. साहित्या[illegible], पर्यायान भाशेंतली सर्जनशीलताय उकतीं करपाचें माध्यम हें अखेरेक मा[illegible] – परिसरभासच उजळायत आसता. हेर भासांचो कांच धरून आमचे[illegible] भाशेलागीं आशिल्ली आमची लागणूक इल्लीय धील जावंक पावची ना[illegible] दोळे उकते दवरून आमी पाळत दवरुपाचो वेळ आयला.

*

हळदकुकूम

सुधा खरंगटे

आज ताईलो हळदकुकूम! पयलोच, म्हणून कुळारा करपाचो!

घरांत सामको बोवाळ-बोवाळ चल्ला. आजी, वैनी, काकी, आका... सगळींच जाणां सामकीं कामांत!

फुलयिल्ल्या तिळांचो वास सुटला. आकान व्हडली परात घेवन तांतूंत सगळी खाज एकठांय केली. तीळ, भिकणां, भाजिल्ली दाळ, कातले कुडके आनी काजू बियांचे कुडके!

चिकी-गोडाचो पांक करून आईन रान्नी वेलो तोप सकयल देंवयलो आनी आकाक म्हळें, ''आगो, ती कायल दी पळोवया!''

कायल घेवन मागीर मंद उज्यार दवरून आईन वाटीभर पांक तांतूंत घालो आनी चाळपाक लागली. मर्दीच दाये वयलो पांक बोटांचे चिमटेंत घेवन तार आयली काय पळयलें.

''आगो, पांक जायत आयलो गो सुमी...''

''वैनी, हें भोगुणें घेवं गे मापाक?''

''घे! पयलो घाणो करून पळोवया...''

आकान खाजीन भोगुणें उपाट भरून ती खाज कायलींतल्या पांकांत ओतयली.

कायल रान्नी वेल्यान सकयल काडून आईन चाळो मारलो. पांच जाणांच्या धा हातांनी पटपटीत लाडू वळून उडयले.

''बरेऽ जातात गे लाडू! माप सारकें आसा!''

मागीर झपझपीत हेवटेन लाडू तयार जावन तांची रास जावंक लागली. तेवटेन खाजिचो दोंगर आनी तोपांतलो पांक कमी जावंक लागलो.

एक हात कमरार दवरून आनी दुसऱ्या हातान आपलें तांबडें आलवण तकलेवेल्यान कपलार सारकें ओडून घेत आजी हांसली.

''चवगांचो हात खंय दुस्मानाचेर लेगीत पडुं नये.'' तिणें ओपार मारली.

घरभर तिळां-लाडवांचो घमघम सुटलो.

मागीर भाऊ आनी काका येवन लाडवांची रूच पळोवन गेले.

मुन्नी थंयच खाजिचे परातींत हात घालून चाळत बशिल्लें. मर्दीच दाळ काडून तोंडांत उडय, भिकणां सोद अशें करतालें.

''आगो मुन्नी, तुजें हांगा कितें करता? चल, भायर वच खेळपाक... तुगेले सोनीक घे आनी खेळ तिचे बराबर.''

आईन थंयच आशिल्ली ताची बावली काडून मुन्नीच्या हातांत दिली.

''हांव ना! माका लालू कलूंक जाय!''

''आयलें हें व्हडलें लालू करपी! लालू खंय लालू! चार सोंपून पांचवें वर्स लागलें घोडयेक आनी अजून लुडबें उलयता म्हणून बरें!... चल थंयचें!...'' आईन धेंगसो घालो.

मुन्नीच्या दोळ्यांत रोखडींच उदकाचीं कोणां भरलीं.

''पावसा पावसा योऽ रे योऽऽ'', ताईन चाळोवपाक सुरवात केली.

मुन्नी मागीर हिमट्यो काडून रडूंक लागलें.

''ताचे वाटेक वचनाकात गो!'' आजी तापली. ती खांब्याक तेंकून थंयच उबी आसली.

''पूण पळे तरी ताका, कशें बुळुबुळू करून रडटा तें.''

''मुन्नी, शाण्या, अशें रडूबाय जावंचें न्हय आं! तूं शाणें न्हय म्हजें? कर आं, तूं लाडू कर आं...!''

आज्जेन वेंगेंत काडलें तशी मुन्नीची रड थांबली. आनी नेटान सगळ्यांकडेन पळयत ताणें खाजिचे परातींत परतो हात घालो. खाज वयर सकयल करतना जमनीर रकली. पूण आतां मुन्नीक उलोवपाची कोणाचीच कापाजदाद नाशिल्ली. मुन्नीय बी तें बेस बरें जाणा आशिल्लें.

ताई सामकें सपनेल्ल्या दोळ्यांनी लाडू वळटालें. बाकिच्यांचे चार लाडू जातासर ताचो एक जातालो... ताचें मन दुसरेच कडेन...

पयलो हळदकुकूम! सगळ्या गांवाक आमंत्रण दिवन जालां. ताईल्या घरचीं – मांय, जाव, नणंद बी येवपाचीं आसात. घरच्यान वायणां धाडल्यांत. चिडक्यो आनी नाल्ल! चिडक्यो कितल्यो सोबीत रंगयल्यात! पयल्या हळदकुकमाक चिडकी-वाटीच वाटपाची रीत! चिडकेच्या गळ्यांत अनशिच्या दोऱ्यान गुंथिल्ल्यो पांच काळ्यो पिड्डुको बांदल्यात. चिडके भितर पांच तरेचीं धान्यां घाल्यांत. ताई येवजितालें – नाल्लाच्या वळ्यांत चिडकी दवरप, दुसरें वळें तिचेर धांपप. मागीर पदराच्या तोंकान धरून पोंदचें वळें आनी चिडकी सवायशिणीक दिवप!

मुन्नीक आतां लाडू वळपाचो बेजार आयलो. सोनीक – आपले बावलेक खांक्याक मारून तें उठलें आनी सालांत गेलें. सालांत मेजार चिडक्यो सारक्यो मांडून दवरिल्ल्यो त्यो मुन्नीचे नदरेंत गेल्यो. तांबड्योच चिडक्यो. धव्या आनी भांगराच्या रंगान तांचेर काय बरी वेल कशी काडिल्ली! चिडकेच्या तोंडार इल्लेंशें धांकणें! मुन्नी सामकें म्हऱ्यांत वचून तोखेवपाक लागलें... काय बऱ्यो इल्ल्योश्यो मडक्यो... म्हाका खेळपाक मेळटल्यो...! ताच्या मनांतली खोस ताच्या तोंडार दाटून आयली...

इतल्यान भाऊन ताका धपकायलें.

''ए मुन्नीऽ! चिडक्यांक हात लावप ना आं! फोडून-बिडून उडयशीत! चल, भायर चल पडवेर. थंय खेळ!''

भायर गेल्यार तुळशी कडेन आंगणांत गर्दी! ताई भांगरां बी घालून तुळशीकडेन वायण दिवंक बशिल्लें. ताचे भोंवतणीं सगळीं जमिल्लीं.

एक-एकलें एक एक सांगतालें —

''आगो, तशें करप न्हय गो! एकाच हातान कितें चणे दवरता? दोनूय हातांचो असो पोसो कर आनी चणे तुळशींत दवर...''

''अश्शें! आतां पदरान धरून वायण दवर. तिळगूळ दवर...! आगो मुन्नी, तूं कितें करता तें?''

''हांव पलय दोनय हातांनी चने घालतां...!'' दोनूय मुठी चण्यांनी भरून तुळशीचेर शेंवटीत मुन्नीन हात आईच्या पदराक पुसले.

''बाय, अशें करूं नये आं! ताई देव करता न्हय? ओगी बसप आनी पळोवप!''

ताटांत पांचूच चिडक्यो आशिल्ल्यो. स्पेशल चिडक्यो. ह्या चिडक्यांच्या गळ्यांत पिड्डुकांबरोबर एक-एक ल्हानसो भांगराचो मणी गुंथिल्लो. चिडकेभितर पांच धान्यांबरोबर नाखटायेदी रुप्याची वाटी आशिल्ली. ह्यो चिडक्यो रिती प्रमाण घोवागेरच्यान धाडिल्ल्यो. तांतली एक तुळशीक दवरून जाल्ली.

''वैनी, आतां ह्यो चिडक्यो कोणा-कोणाक दिवप सांग आं म्हाका...!''

''आगो, तुळशी कडेन दवरल्या ती तुका. एक देवतेक काडून दवर. एक आवयक दी, एक मांयक दी...!''

''तरीकय एक उरता मगे!''

''दी मागीर तुजे व्हडले जावेक!''

मुन्नी थंड बसून आयकतालें. पूण पांचूय चिडक्यांचे वांटे जातकीर मात ताच्यान रावं नजो जालें.

''आनी माका गो? मजी चिलकी खंय?''

''ही आयली व्हडली सवाशीण! आगो, तुजें लग्न जालां?''

''आई, माका लग्न कल मगे! माका चिलकी दी मगे!''

आज्जेन मागीर ताईकच तापयलें.

''सवायशीण न्हय जाल्यार कितें जालें? कुमारिका ती! शांतादुर्गेची वोडवी ती! दी ताका एक – ताच्या तोंडान देवताच मागता जातली... पाटार बसोवन हळदकुकूम दी ताका...!''

मागीर सालांतल्यान एक चिडकी हाडून ती मुन्नीक दिवपाचो सुवाळोच जालो. देवतेची वोडवी न्हय? मुन्नीनय बी खुशालभरीत जावन पाटार बसून हळदकुकूम लावन घेतलो. चणे बोल्सांत घाले. तिळांलाडू तोंडांत भरलो आनी चिडकी घेवन उठलें तें सोनीक खांक्यांत मारून पडवेर गेलें.

हळडुवींच शेंवतीं आनी तांबडींगुंज रतनआबोलीं घेवन सुलू आनी वत्सू फांतयो घालूंक बशिल्लीं. पांयांच्या आखाण्याक केळिचो वाय घुसपायिल्लो. वायाचेर पोंदाक शेंवतें धरून ताचेर तांबडींच रतनआबोलीं... तांच्या देंठांचीं मोतयां वयर काडीत फांतयो घालतालीं. मर्दी मर्दी पांचवो बोकडयो आनी झगझगीत झीग...!

''मुन्नीबाय, फांतयांक हात लावप ना...''

''देवाच्यो फांतयो? देवाक मालपाच्यो?''

''देवाच्यो न्हय गो!''

''कोनाच्यो तल?''

''ह्यो दोन मगो ताईक, ही आईक, ही आकाक...''

''आनी मजी फांती खंय?''

''तुका आंबाडो खंय आसा? तूं खंय माळटलें?''

''हांव हांगा मायतलें?'' मुन्नीन ताळवेर हात दवरून सांगलें.

''आबोल्यांचो गोण तुजे ताळवेर गोऽऽ.'' सुलू कांतरां करून ताका हांसूंक लागलें.

मुन्नीचे पोले फुगले. तें रडकुरें परतलें. तशें वत्सून ताका बेगीन बेगीन म्हन्यांत ओडलें.

''मुन्नी, हांव घालतां आं तुका फांती! कसली जाय? शेंवत्यांची काय आबोल्यांची?''

''माका ही जाय... तांबली... तांबली...'' दोनूय हातांच्या मुठिंनी रतनआबोलीं मुड्डीत मुन्नीन सांगलें.

''आगो, आगो, अशीं फुलां मुड्डूं नये...!''

''फुलांक दुकता?''

''हय तर!''

''मागील तीं ललनात किद्याक? फुलां किद्याक ललनात?''

''आतां पळे, तुका फांती जाय मगो? मागीर ओग्गी बस पळोवया!''

वत्सून मागीर मुन्नीखातीर रतनआबोल्यांची झीग बी धरून सुंदर फांती घाली. मुन्नीचे केंस वळोवन ताचे ताळवेर ती फांती बांदली. आपल्या माथ्य... लिगां काडून तीं लावन फांती बरी घट्ट बसयली.

मुन्नीच्या काळ्याकाळ्या मुदयाळ्या केंसांचेर ती तांबडीगुंज फांती सो... दिसूंक लागली.

मुन्नी मागीर सामकें तांबडें - खूश जालें!

घरांत पयलींच उत्सवाचो सो बोवाळ – घरभर गोड गोड वास... ता... ताका चिडकी मेळ्ळ्या खेळपाक आनी आतां ही फांती...!!

मुन्नीची खोस सामकी भरून ओतपाक लागली. पांयांतलीं पायज... छुमछुमायत तें सगळ्यांक आपली फांती आनी चिडकी दाखयत सुटलें.

''मुन्नी, यो राणी, आतां माम्माम् करया न्हय? गोड-गोड पायस खा... मुगो?'' आईन ताका मायेन म्हऱ्यांत ओडलें.

''आई, मजी तांबली-तांबली फांती पलय...''

''आगेऽ बायेऽऽ! कोणें माळ्ळी म्हज्या शाण्याक?''

''वच्चूताईन...''

मुन्नी आज मात्तूय मस्ती करी नासतना मुटमुटीत जेवलें.

''आतां शाणें जालें आं बाय म्हजें!'' आईन ताका तोखेत म्हळें.

मुन्नी मागीर आपले भितरूच मुरगुटलें.

दनपार उलगली. भितरले कुडींत साडयांचो, शालवांचो बोवाळ...!

''ए ताई, हांव ही चंदेरी साडी न्हेसूं काय हें सिल्क गो? पळे पळोवया...''

''दोनूय साडयो बऱ्यो दिसतात! पूण आज तूं तुजी ती कांजीवरम सा... न्हेस मगो! परकी लोक घरांत येवपाचीं...''

''परकी म्हळ्यार तुगेलीं घरचीं मुगो?''

ताई लजलें. ताका हांसत सुमीन मागीर कांजीवरम साडी काडली.

''वैनी, म्हाका हो णववारी शालू न्हेसयता मगे? सामकें घुस्पतां गे हांव...''

ताईच्या हातांत गोंट-पाटल्यो, कांकणां-तोडे किणकिणटाले. गळ्यांत ह... माथ्याक भांगतिळो, नाकांत नथ, कानांत वेड... ताई सारकेंच लक्षीम व... दिसतालें.

मुन्नीक ताईची नथ बरीऽ दिसली.

''माकाय बी तसलें नाकाक घाल...''

''आगो पोरा, तुजें नाक खंय तोपलां नथ घालपाक?''

''मजें नाक तोप तल... माका दी तें...''

''हाड गो सूय... तोपया हाचें नाक.'' आकान फकाणां केलीं.

''नाकाक सूय तोपप?''

''हय तर! बुराक जावंक नाका?''

''मागील लगत येता?''

''हय तर!''

''मागील बुबूऽ जाता?''

''हय! जाय तुका नथ?''

मुन्नीक नथ आवडना जाली. पूण आतां ताका भांगतिळो बरो दिसलो...

''हेंऽ तें केंसांत माका घाल!''

''वैनी, पळे गे मुन्नीक!''

आईन मागीर मुन्नीक हांडीर मारलें. ''चल, म्हजे बायेक हांव घाल... आं सगळें. नवो पोपो घालतलें मुगो सुंदर सुंदर...!''

मागीर आईन मुन्नीक सजयलें. चार घेऱ्यांचो नायलॉनचो गुलाबीच व्हिस... घालो. गळ्यांत सरपळी घाली, हातांत कांकणां घालीं. पोव लायलो, दोळ्य... काजळ घालें.

मुन्नी नाचत-नाचत आज्जेम्हऱ्यांत गेलें.

''आऽ ज्जेऽऽ, पलय! म्हजी चिलकीऽ, म्हजी फाती, मजो पोपोऽ!''

''आगे बायेऽ! कोणें गो हाका फांती बी माळून नटयलां? कमल, बे... काळें लाय हाच्या पोल्याक! दिश्ट लागतकीर मागीर कळटलें! आनी ल...

रग्यांक अशो रतनआबोल्यांच्यो फांतयो माळनात... जाणा मुगो? अशें ड नटोवंनये गो भुरग्याक! सगळ्यांचे दोळे सारके नासतात! मनशाचीच त्याक, झाडांपेडांची, पानांफुलांची आनी फातरांची लेगीत दिश्ट लागता...''

''आज्जे, पुरो गे तुजें! ओगीच किदें!''

''आमगेलीं पुता जाणट्यांलीं तत्वज्ञानां! तुमी आतांच्यो चलयो आयकूंक ायल्यांत? करात फकाणां म्हजीं!'' आजी बडबडत रावली. आईन बेगीन गीन काजळाची डबी हाडली आनी मुन्नीच्या पोल्याक ताचें बोट लायलें. शी आजी बडबडपाची थांबली.

नवो व्हिस्तीद घालून, सोनीक खांक्यांत मारून आपली चिडकी घेवन मुन्नी घरभर घुसळ घालूंक लागलें.

''आगो, मदीं मदीं घुसपुंनाका गो! हांव पडटलें आस्लें पळे!''

''मुन्नी, चल आतां सालांत वचून बस! आतां हळदकुकमाक खूब बायलो येतल्यो! तांकां आमी मागीर हळदकुकूम लावया...''

''आनी किदें कलया?''

''आनी चेर लावया.''

''आनी किदें कलया?''

''आनी चणे दिवया, तिळगूळ दिवया, चिडकी दिवया...''

सालांत बसपाक बरीं जमखानां घाल्लीं. शेंदऱ्यो घाल्ल्यो. मुन्नी हरणाचें चित्र आशिल्ले नवे शेंदरेर वचून बसलें.

- 'टण्! टण्! टण्! टण!' सालांतली घडयाळ वाजली.

मुन्नीक बसून बसून वाज येवपाक लागलो.

भितर सगळीं साडयो न्हेसतालीं, आमाडे घालतालीं, फांतयो माळटालीं.

मुन्नी मागीर मागीलदारांत गेलें.

लक्षीमें न्हाणयेंतल्या व्हडल्या भाणांत कळसुल्यांनी उदक भरतालें.

''लचीमी, तूं किदें कलता?''

''मुन्नीबाय, हांव उदीक भरतां आं!''

''तूं उदक कित्याक भलता?''

''भाऊक रातचें न्हावों नाका?''

''लचीमी, हांवय उदक भलतां...''

''पिशें! तुज्यान कळसुली उबारूं येता?''

''म्हजी पलय, चिलकी आसा!'' मुन्नीन लक्षीम्याक आपली चिडकी दाखली.

''बरी आहा आं तुजी मडकी! चल घरांक वचोंया! उदकांत पडल्यार तुका थंडी जातली...''

''पून माका चिलकेंत उदक भलूंक जाय!''

''तुका आनी कित्याक तें उदीक?''

''मजे शोनीक घुश्श्याऽ कलूंक जाय!'' आपली बावली लक्षीम्या मुखार नाचयत मुन्नीन सांगलें.

''मागीर भरया आं उदीक! यो आतां. आमी भितर या घरांत...''

लक्षीमें मुन्नीक भितर घेवन आयलें. ताणें मागीलदार आड केलें. मुन्नीक मात आत्तांच उदक भरूंक जाय आसलें. ताचे बावलेक न्हाणोवंक जाय आसलें. ताणें मागीलदार उकतें केलें. मागीलदारची सदचीच वाट... सरळ पाण्ट्यार वताली.

मुन्नी ते वाटेन आईबरोबर तिच्या बोटाक धरून सदांच पाण्ट्यार वतालें. आईलें न्हावन जायसर पावलभर उदकांत पचपच करून नाचतालें. धडेर बसून उदकांत फातर शेंवटितालें.

मुन्नीन आपलीं धाकटुलीं जोतीं पांयांत घालीं... आईबरोबर वतना घालतालें तशीं... आनी पाण्ट्याचे वाटेर सरळ चलूंक लागलें.

वत अजूनय खर आशिल्लें. कितलो उजो जातालो. मुन्नी सामकें घामेलें! चलून चलून ताचे पांय वळून आयले. ताका पुरो जालें. पूण पयसुल्ल्यान व्हांवतलो पाण्टो ताका आपयतालो – 'मुन्नी, यो! बेगीन बेगीन यो!''

त्या किण्ण वाठारांत मुन्नीलीं पांयजणां वाजतालीं. पाण्ट्यार जितो मूस लेगीत नाशिल्लो. पाण्ट्याचें उदक व्हांवतालें... नितळ हारशाभशेन! मुन्नीन आपलीं जोतीं काडून धडेर दवरलीं.

''शोनी, हांगाच बश आं! तुका घुश्श्याऽ कलतां!'' बावलेक धडेर बसयत ताणें सांगलें. चिडकी हातांत घेवन पांयजणां घाल्लें एक गोरेंपिट्ट पावल ताणें उदकांत घालें...

हळदकुकमाच्यो बायलो जमूंक लागल्यो. नवीं कापडां, साडयो, माथ्यांत फुलां-फांतयो! बशिल्लेकडेन एकामेकांची खबर घेवप, नविदादी सांगप चलतालें.

भितर ताईली मांय, जाव आनी नणंद च्या घेतालीं. मदींच ताईले मांयन म्हळें, ''आनी मुन्नी खंय तर आज? बोवाळ ना सो ताचो?''

''भायर आसतलें सालांत! ताका एक चिडकी दिल्या न्ही, ती घेवन नाचत आसा. मुन्नीऽ, ए मुन्नीऽऽ'', आका मुन्नीक हाडपाक सालांत गेलें. पूण मुन्नी सालांत नाशिल्लें.

''वैनी, मुन्नी खंय गे? ताईली मांय विचारता ताका!''

''आत्तां हांगाच आशिल्लें. भायर पडवेर पळय. बसलां जातलें आपणाली चिडकी आनी बावली घेवन खेळत!''

पूण पडवेरूय मुन्नी दिसलेंच ना.

मागीर घरभर सगळीं मुन्नीक सोदूंक लागलीं.

''आत्तां तर हांगाच आशिल्लें! रांदची कूड, मदली कूड, कोठये कूड, वासरी, माळी... खंयच मुन्नी ना. खंय गेलें काय हें पोर?''

शेजाऱ्यांगेर विचारून जालें.

''आत्तांच हांगा पळयिल्लें'', विचारिल्लो सांगतालो. आतां मात सगळ्यांचेर कलकल आयलो.

मुन्नीची आई कपलां आपटून घेवंक लागली... पिशांभशेन 'मुन्नी गोऽ मुन्नी गोऽ' करीत हांगाथंय धांवक लागलीं. आज्जेलें तोंड मात वाजतालें – ''तरी हांव सांगतालें, पोराक नटयनाकात, फुलां माळुंनाकात! कोण कसो भुलोवन व्हरता सांगूंक नजो! देवते, धाव गे सायबिणी! शांतादुर्गे, तुज्या बाळकाक तूं राख! दनपारच्या कडार झाडां आनी फातर लेगीत भुलयतात... पाण्टो आनी बांयो लेगीत ओडून व्हरतात उदकांत... कोणें भुलयलें रे म्हजे बायेकऽ!''

पाण्टो, बांय, उदक हीं उतरां कानार पडनाफुडें लक्षीम्यान व्हडान किळांच मारली.

''आज्जेऽ, मडकेंत उदीक भरून बावलेक न्हाणयतां म्हणटालें गेऽ'' आनी मागीलदारच्यान ताणें पाण्ट्यार धांव मारली. फाटोफाट आजी – तांबड्या आळवणाचो पदर बोडावेल्यान सकल देंवला हाचें भान नाशिल्ली, उकती बोडकी.

''मुन्नी गोऽऽ! मुन्नी गो!!'' आज्जेचे उले आयकतल्यांचें काळीज हालयतालें.

झाडांनी हळूच आंग चोरून घेतलें. वारो खंय तोंड लिपोवन बसलो कोण जाणा! वाटेवेले फातर मेल्लेभशेन पडून रावले. शेवणीं-सुकणीं मोनीं जालीं.

पाण्ट्याचें उदक आपूण कांय नकळच जाल्लेभशेन थंडसाणेन व्हांवतालें.

उदकार उफेताली ती रतनआबोल्यांची फांती मात कितेंतरी उलोवंक सोदताली.

आनी पाण्ट्याचे धडेर मुन्नीची बावली इल्लेंशें तोंड करून मुन्नीची वाट पळेत बशिल्ली... एकटीच!!

* * *

तिरसुवाद बोरकारालो तीर-सुवादीक कॉलम

दिलीप बोरकार

समाजांतल्यो नश्ट्यो पाड्यो तश्यो दांभीक ढोंगी चाली-रिती हुमटावन काडच्यो आसत जाल्यार तांचो निखटो विरोध करून भागना. विरोध करतकच त्यो आत्मसंरक्षणाचें कवच आंगार चडोवन चलतात आनी भितल्ले भितर पोसवण घेवन घट जातात. तांच्यो बकच्छायो करूंक जाय, म्हणटकच त्यो लजपाक लागतात आनी इल्ल्यो इल्ल्यो करून हुमटून पडटात. वॉल्तेर, आनातॉल फ्रान्स, बर्नाड शॉ सारकेल्या विचारवंतांनी बकच्छायो करपाची एक शैली विकसावन काडिल्ली आनी युरोपांतल्या दांभीक, ढोंगी चाली-रिर्ती आड बंड चलयल्लें. हे शैलीक साहित्यांत 'सर्कार्जम' म्हणटात. ही शैली दिलीप बोरकारांक थोडी भोव साधल्या म्हूण आमी तांकां हें नवें सदर 'जागां'तल्यान सुरू करूंक सांगिल्लें. कोंकणी बरपावळींत हे तरेची ही शैली विकसून येवंक जाय इतलेच खातीर. मुजरत सांगूंक जाय तें हें – तांच्यो बकच्छायो 'जागा'क मान्य आसात अशें मात कोणें मानचें न्हय आनी कोणूय दुखावलो जाल्यार ताणें तें उस्तऱ्यां व्हरचें न्हय. हांश्यार व्हरून ही शैली कोंकणींत विकसूंक दिवची हें मागणें.

— वावुरपी संपादपी

माधवी मेळूंक आयलें.

आषाढ म्हयन्यांतल्या भर पावसांत.

आषाढ म्हयन्यांत बायलां चडशीं कुळारा वतात.

चंद्रकांत केणयांचो 'आषाढ पांवळी' हो निबंध वाचून तर वचनाशिल्लीं लेगीत वचूंक शिकल्यांत.

आषाढांतली पयली पांवळी पडटा तेन्ना नवे व्हंकलेन मांवाचें तोंड पळयत जाल्यार तें मांवाक वायट अशें जाण्टेल्यांनी कितें करी रूपक घडोवन दवरलां अशें त्या निबंधांत बरयत सावन मांवूच नवे व्हंकलेक कुळारा धाडटा खंय!

असल्या रुपकांचेर आतांच्या व्हंकलांचो विस्वास ना. आनी तरी आपल्या मांवाचें वायट जावंचें म्हूण हांतल्यो कांय व्हंकलो आपल्या कुळारा वचनात ही वेगळी गजाल. खंयच्याय साहित्याचो जनमानसाचेर पडपी प्रभाव हाची ही जिती-जागती देख अशें मानूं येता.

'आषाढ पांवळी' हो निबंध काय ती कथा हो एक वादाचो विशय. ताचेर गोंय विद्यापिठांत बारकायेन आनी खोलायेन संशोधन चल्लां. ताका निबंध म्हणत जाल्यार शीला कोळंबकाराचीं 'भुंग्रचाफीं' निबंध थरतात. आनी कथा म्हळी जाल्यार घुस्पागोंदळ जाता. म्हाका 'समकालीन कोंकणी कथा' आनी श्याम वेरेंकारान संपादीत केल्ल्या निबंध संग्रहांत गोंदळ निर्माण करपाचो ना. दत्ता नायक आनी रजनी भेंब्रे हांकां लागून तो जाला तातूंत हांव समादानी आसां.

तर सांगपाचें म्हळ्यार, आषाढांत माधवी आमगेर आयलें. कुळारा म्हूण न्हय तर कुळारच्या कामा खातीर. माधवीच्या कुळारच्यान जाग म्हणून एक म्हयनाळें येता. खूऽऽब वर्सां सावन. ताचेर हांवें केन्नाच बरोवंक ना पूण तें नेमान वाचलां. देखून तें तगलां आसूं येता. त्या म्हयनाळ्याचें माधवी वावुरपी संपादक. पयलीं दिसलें, तें जागाची वर्गणी व्हरूंक आयलां. हांवें बेगीबेगीन बोल्सांत हात घालो.

'सांगचे पयलींच तुवें तयार दवरलो?' बोल्सांतल्यान हात भायर येवचे पयलींच माधवीचो प्रस्न.

'तयार दवरलो न्हय. तयार दवरली, वर्गणी.' हांवें ताचें व्याकरण सुदारलें.

कोंकणीच्या भयण-भासांचो प्रभाव विद्यापिठांतल्या कोंकणी विद्या[illegible] पडला हें समजूं येता. पूण तो माधवीचेर पडत अशें चिंतूंक नाशिल्[illegible]

हांवें वर्गणिचे पयशे बोल्सांतल्यान भायर काडले. तें हात फार्टी[illegible] दोळे फुडें करून पळयत रावलें. ताचो भौतेक विस्वास बसलोना [illegible] हांव नोकरी नासतनाय गाडी घेवन भोंवतां हाचेरूय जायत्या ज[illegible] विस्वास बसना. शिवाय हालींसराक शंबरांच्यो-पांचशांचो नोटीय [illegible] येतात.

'हांव वर्गणी व्हरूंक येवंक ना. लेख व्हरूंक आयलां. आगस्ट[illegible] जागाक तुजो कॉलम जाय. हांवें सांगचे आदींच तुवें तो तयार [illegible] अशें हांव समजलें.'

अशें म्हणत माधवी हांसलें. ताका हांसपाक कारण लागना [illegible] खरें आसलें तरी तें आतां कित्याक हांसलें तें म्हाका कळूंक ना[illegible] मुखार हें तागेलें दुसरे खेपे हांसप.

पयले फावट म्हजे सामकार तें अशें हांशिल्लें १९९५च्या [illegible] म्हयन्यांत. म्हाका साहित्य अकादेमी पुरस्कार फाव जाला हें हांवें[illegible] सांगलें तेन्ना. माधवी कारणाविरयत हांसता हातूंत जरी तथ्य आस[illegible] तें त्या वेळार हांसलें तातूंत म्हाका मालीश दिसलेंना. ताचें कारण म[illegible] तातो बुद्धाचेर अभ्यास करता हें हांव जाणा आशिल्लों. जेन्ना तातो[illegible] अभ्यास करता तेन्ना ताचो प्रभाव माधवीचेर पडूंकच जाय. हाचोच[illegible] माधवीचेर बुद्धाचो प्रभाव पडला असो म्हजो समज. देखून तें जेन्ना[illegible] तेन्ना हांव धरून चल्लों, 'बुद्ध हांसलो.' बुद्ध पयले खेप हांशिल्लो [illegible] वर्सां पयलीं जेन्ना इंदिरेन पोखरणांत अणुस्फोट चांचणी केल्ली तेन्ना. म[illegible] पयले खेप हांशिल्लें म्हाका साहित्य अकादमी पुरस्कार मेळ्ळा तेन्ना[illegible] दुसरे खेप हांसलो अटलजीन हालींचं अणुचांचणी केली तेन्ना. त्या [illegible] जगभर बोवाळ जालो. तशेंच माधवी हालींच आषाढांत हांसलें. म्हजे[illegible] तेन्ना म्हाका भास जालो, हो हांसो कोंकणी जगतांत बोवाळ क[illegible] न्हय मू?

'दिलीप, जागाक आगस्टाच्यान तुजो कॉलम जाय.' माधवी[illegible] आनी हांव भिलों. तसो हांव कोणाक भियेना. म्हाका कॉलम बर[illegible]

ांगूक माधवीक धाडस कशें जालें? तो कांय दत्ता नायक कॉलम न्हय. ताका कॉलम बरोवंक सांगप म्हळ्यार संपादकाक न्हय, मालकाक लेगीत विसांत घालप. हे पयलीं तशें घडलां. अशें आसतना माधवीन रिस्क घेवप? हांव चिंतूंक पडलों.

माधवी विद्यापीठांत परमनंट जालां आसूं येता. ओलिव्हीनबाब पुर्तुगालाक गेला आसूं येता वा डीन जाल्ल्याक गांधीवादी जाला आसूं येता. वा कोंकणी विभागांतल्या बायलांनी एकवट केला आसूं येता. नातर माधवीक अशें उज्यांत हात घालपाचें धाडसूच जावपाचें ना.

'बरयता मरे? आनी तांचीं नांवां चड घेवं नाका.'

कोणाचीं नांवां घेवंक फावना हें हांव अणभवान जाणां आशिल्लों.

'पूण म्हाका एक सांग गो... तुका 'जाग' बंद बी करपाचें आसा?'

'हें, ना. कित्याक?'

'ना. म्हाका बरोवंक सांगता म्हूण म्हणटां.'

'तें हांवें न्हय, तातोन सांगलां!' माधवीन परत हांसत म्हळें आनी म्हजी ट्यूब लायट पेंटली.

तातो लोकांक तिडावन तिडावन थकला. तो लोकांक कुसां पुरता आनी कूस चवताळ्ळे म्हणटकच हांसत बसता. तांचे टिकेचो तातोचेर कांयच परिणाम जायना. आतां आपली गादी तो म्हाका चलोवंक सांगता आसुंये.

हांवें माधवीक म्हळें, 'चल बरयतां. पूण हांव बरयतलों तें असलेंच बरयतलों आं!'

'पूण तूं असलेंच कित्याक बरयता?'

'आगो, असलें बरोवप कोंकणींत कोणाक जमना. जमता जरी आसलें तरी तातूंत पुरस्कार मेळनात. गाळी मेळटात. असलें बरोवपी पयलीं फकत अना आशिल्लो.'

'मागीर तूं कित्याक भानगडींत पडटा? ताका बरोवंदी. न्ही रे राजूऽ?'

राजू नासतना लेगीत माधवीन 'न्ही रे राजू' म्हळें. म्हणूं. संवयेचो गूण.

'आगो, हो साहित्याचो प्रकार. आतां साहित्य अकादमी, नॅशनल बूक ट्रस्ट बी साहित्याचें संकलन करता.'

'पुंडलीक नायक, श्याम वेरेंकार बी हांणी केलां तसलें म्हणटा मरे तूं?'

'हय. फुडें समज उपहासात्मक साहित्याचें संकलन करपाचें थारायलें, जाल्यार अना फकत आपूण संपादक जावन आपलेंच साहित्य घेतलो. भानगडी नाकात म्हूण मर्दी राम बा. प्रभू चोडणेकार आनी हरिश्चंद्र नागवेंकार हांचें साहित्य घेतलो. अनाक स्पर्धक जाय म्हूण हांव असलें बरयतां.'

'तूं बरय रे. हांवें खंय नाका म्हळां. पूण म्हाका सांग, तुका साहित्य अकादमी असलो असायनमेंट दितली?'

'सांगूं नज. दितय बी. आतां आमचो फेलीक्सबाब आसा न्हय गो... ताका दिल्ली टॅक्सीवाले सरदारजी फटयतात. अशें आसतना म्हाका असलें कितेंय मेळप कठीण न्हय.' हांवें म्हळें आनी माधवी हांसलें.

आषाढांत माधवी मेळिल्लें तेन्ना खुबदां हांसलें जरी आसलें तरी तें हांव एकदांच धरतां. कित्याक तें एकदांच म्हाका मेळिल्लें. कॉलम बरय म्हूण सांगूंक!

* * *

गांधारी बा !

□ नागेश करमली

गांधारी बा,
पुरो, सोड तो
दोळ्यांवयलो फाडो !
घडपाचें घडून गेलें
कुड्डेपणांतच सगळें
आशिल्लें ना-शें जालें.
धड आसून नदर तुजी
कित्याक आतां तरी
उजवाडाक करिना फुडो ?

बा गांधारी
पुरो, सोड तो
दोळ्यांवयलो फाडो !

तो जातकच कुड्डो आसलो;
ताका तुजो
कांयच उपाय नासलो
ताच्या कुड्डेपणांत –
ताचेच खातीर
तुंवेंय इतलो काळ
काळोक आनी काळोकच
उसपिलो.
तुजी संतत ?
जाली, वाडली आनी गेली
तुंवें आपणायिल्ल्या
काळकांत –
तुजीं दुख्खां कितें तीं
फकत तुकाच कळ्ळीं !

सगळें घडून आतां
– दैव तरी कितें पळे,
परतूय तुजो जीव
तो घोव आसूनय एकोडो !
पुरो, सोड तो
गांधारी बा
आतां तरी
दोळ्यांवयलो फाडो !

संस्कृताय ताणेंच तिगयल्या

□ नूतन साखरदांडे

दनपारच्या वता रखरखार
चार चवगांवरी हांवूय बी नटून थटून
भुरग्यांबाळां सयत
त्या लोकांचे गर्दींत
रोमटा मेळा-सर्त
पळोवंक उबें.
सर्त सुरू जाता
आनी ओस्सय ओस्सयच्या
तालार आमचे गांवचो
दोळे दिपकावपी
विजयरथ मिरयत येता
सगळ्यांच्यो नदरो विजयरथ तोखेतात
तेन्ना म्हजी नदर
मात आमचे गांवच्या
पंढरीचेर
हय, पंढरी अजून आसा
धुंद जावन नाचत
म्हाका याद जाता
म्हज्या भुरगेपणांत
मारुतीचें रुपडें घालून
शबय शबय करीत
दर एकल्याच्या दारांत
नाचपी पंढरी

''भली घाटार साकून आली गे
भले नागयेली
भले पानयेली''
म्हणत तळी नाचोवपी
पंढरी
बायलेकडेन बरी साडी ना
म्हूण शेजान्निली साडी मागून
फेटो बांदपी
चुरिल्ल्या पोन्न्या बुशकोटाक
कट्ट्याचें फॅर्र मारून
आनी फुगोवन फुगोवन
चेड्यान दिल्ली पॅण्ट चडोवन
शिगम्या मेळाक नाचपी पंढरी
तसोच आसा.
परिस्थिती इबाडल्या,
पूण ताची उमेद वाडत आसा
रोमटा मेळ फुडें पावता
आनी म्हज्या गांवची
संस्कृताय तिगोवन दवरपी
पंढरीमुखार हांव मोटवें जातां
आनी म्हजी मान आपसूक बागवता.

परमात्म

□ राजश्री महाबळेश्वर सैल

अशेच मुडद्या भशेन जीण जियेतात
सगलेच अर्थहीन
हांचे जिणेक कांय अर्थ ना, ना मरणाक
अर्थहीन जाळ्याचो हो चक्रव्यूह
अंतहीन जाळ्याचो हो चक्रव्यूह
धांवता एके अवस्थेंतल्यान दुसरेंत
तरीय थंयच आसा मुडद्यांलें जिणें
कित्याक हांकां जिते जळयनात
कित्याक हांकां जिते पुरनात
हांकां कोणाचेर भरपूर मोग ना
नाय कोणाचेर भरपूर द्वेश
खंयच्यातरी भर रस्त्यावेल्या शिंप्यान भायर
उडयल्ल्या चिंध्यांनी विणलां हांचें जिणें
फकत मुडद्याभशेन जगप
कितें चिंतप ना, कितें रोवप ना, कितें पिकोवप ना
फकत ह्या चक्रव्युहांत स्वताक घुंवडावप,
ह्या जाळ्यांत शेणप
हांचे पिरायेक कांय अर्थ ना
केंसांचे धवसाणेक अर्थ ना
हे राय न्हय, हे भिकारी न्हय
हे संन्यासी न्हय, हे भक्तय न्हय
पूण तरीय जगतात
हडद्या सकयल्लो वेंतभर फोंड भरत भरत जगतात
हे तर आत्मेय न्हय
हे तर शरीरय न्हय
वरसांचीं वरसां पसूनचो हो प्रस्न
हे कित्याक जगतात
कित्याखातीर जगतात
खंयचेंय नेतृत्व ना तर हे मरून वतले
खंयचेंय देवत्व ना तर हे पुरून वतले
तरीय चिंतता हें मन फकीर
हे कित्याक जगतात
हे कित्याक जगतात
मन अंतरंग ध्यान अध्यान खंयच्यान उठलो
हो चीर आवाज
सातरंगी कणा शिवाय मळब रितो
कणाकणा शिवाय धतरेचो गर्भ रितो
हांच्या अस्तित्वा शिवाय परमात्म रितो.

आमी बेबे

□ आनंद वर्टी

आमी बेबे आमी बेबे
मेळून म्हणटात डरांय डरांय
तुमच्या जगापरस केदी मोठी आसां आमची बांय!

तुस्त करतात आमचे आमी
चड फुगता तोच स्वामी
ताजें उतर निमाणचें धरतात आमी ताजे पांय।

आमचीं बिळां भुंयेभितर
तरीय पेंवतात उदकावयर
उडक्यो मारूंक आमी हुशार खंयचेय वटेन दिकेन धांय।

आमची जीब लांब केदी
किडे किटक खावंक सोदी
आमकां पिडा दिवप्यांक मुड्डून खावंची आमकां स्वतंत्रताय।


आमची वीण वाडटा बेगीं
राज्य रावता आमचे लागीं
आमचे वरीच जातात सगळे खावपा मेळ्यार फुकेसवाय।

सामवेद करतांच पठन
कुपां येतात भन्न भन्न
आमकां लागून पडटा पावस म्हूण सगळ्यांक आमी जाय।

बुदवंत आमी, आमी शाणे
आमचे भितर कांय ना उणें
देख घेयात जरा आमची बसुंया आमी एकठांय।

हांव कोंकणी कडेन कसो पावलों

तानाजी हळर्णकार



चाळीस-पन्नास वर्सां फाटीं जिका लोक भासूच मानूंक तयार नाशिल्ले ती कोंकणी आयज संविधानाचे आठवे वळेरेंत संस्कृत, हिंदी, बंगाली, मराठी, गुजराथी, तमीळ, मलयाळम, कन्नड सारकेल्या भासांचे पंगतीक बसूंक पावल्या. ही सुवात कोंकणीक आपशींच 'बशिल्ले कडेन' मेळूंक ना. तिका ती जोडची पडल्या, मोठ्या कश्टान झगडून घेवची पडल्या.

कोंकणी चळवळ कोंकणी मनशाच्या इतिहासाचें एक म्हत्वाचें पान. भाशेच्या समाजशास्त्राचे नदरेन तिच्या अभ्यासाक संवसारीक म्हत्वूय आसा. हे चळवळीन उण्या-पुऱ्या चार पिळग्यांचें रगत आटयलां. ती कशी सुरू जाली, कित्याक लागून जाली; तांतूंत कोणे कोणे वांटो घेतलो, कसो, कित्याक घेतलो... ह्या सगळ्या गजालिंचो खोलायेन अभ्यास जावपाची भोव गरज आसा.

आमच्या बऱ्या नशिबान, कोंकणीचें पिशें लागिल्ले, 'रांदचे कुडींतले भाशे'क राजभाशेच्या पाटार बशिल्ली पळेल्ले, हे खातीर झटिल्ले, झरिल्ले कितलेशे कोंकणीचे 'वावराडे मानाय' (शणै गोंयबाबांलीं उतरां) आयज आमचे मजगतीं आसात. देखून 'जागा'च्या नव्या वर्सा सावन हें सदर आमी कोंकणी चळवळींतल्या वावुरप्यांच्या ह्या 'आत्मकथना'क ओंपतात.

— वावुरपी संपादपी

कोंकणी मनशाचें 'कोंकणी' कडेन पावप सभावीक. मराठी मनीस मराठीकडेन, कन्नड मनीस कानडीकडेन, इंग्लीश मनीस इंग्रजीकडेन पावपाइतलें तें सभावीक. तितलेंच तें सोंपें. पूण, चाळीशेक वर्सां फाटीं, कोंकणी मनशाचें कोंकणीकडेन पावप सभावीक आसलें तरी तें तितकें सोंपें नासलें. कारण, अशें पावप हें त्या काळांत साक्षात्कारी जावप आसलें. आनी साक्षात्कार जावप ही गजाल तशी सोंपी नासता.

घडितां घडटात. पूण सगळ्यांकच तांचो साक्षात्कार जावंक पावना. साक्षात्कार घडटलो तर मनशांची तेदी पात्रताय आसची लागता. ते व्यक्तिची तशी तयारी जावंची लागता. सत्य आनी सत्व पारखुपाची आनी पचोवपाची कुवत आसची लागता.

ही कुवत सदांच अनुवंशीकपणान येताच अशें ना. परंपरेन येताच अशें ना. पुस्तकी शिकपांतल्यान येतलीच म्हणपाची खात्री ना. ती येवपाची खात्रिची शक्यताय म्हणजे मनशाचो पिंड, ह्या पिंडान तयार केल्ली ताची मानसिकता, मानसिकतेंतल्यान ताणें कमायल्ली विचारीक नदर. फकत साक्षात्कार जालो म्हण उपकारना. ताका येवकार दिवपाइतलें धाडस लागता. सत्याची निखटी वळख पुरो जायना. सत्याचो कोडू घोंट पिवपाची तयारी लागता. मनाचो पिंड अशी तयारी करून घेता.

प्रगत अशे मराठी भाशेच्या प्रभावी आसऱ्याखाला, जांच्यो पिळग्यांच्यो पिळग्यो वावुरलेल्यो, जांच्या पुर्वजांचो आख्खो संवसारच मराठीमय जाल्लो, कोंकणी मराठीची बोली अशी जांच्या वाडवडिलांची ठाम समजूत जाल्ली, कोंकणी ही अपवित्र वाणी अशी जांच्या घरच्यांची भावना जाल्ली, कोंकणी मराठी वादांत मराठीचो पांखो घेवंक जांच्या भावाबंधवांनी हातांत शस्त्र धरपाची तयारी दवरिल्ली, तांच्या कुळांतलो कोंकणीकडेन पावप ही ल्हानासुमाराची गजाल न्हय. साक्षात्कार घडपाची कुवत आशिल्लो आनी घडिल्लो साक्षात्कार पचोवपाचें बळगें आग्गूंत आशिल्लो, ताकाच तें शक्य जावंक पावलें.

कोंकणीवटेन चलतना हे दैवी शक्तिचो अभिमान इल्लो लेगीत नासलो. ही अशी शक्त आंगांत वसता हाची पूर्ण जागृत अशी जाणीवय नासली. अर्द जागृत अशे जाणिवेचे अवस्थेंत तें घडटालें. घडत रावलें. तत्कालीन परिस्तिती कडेन विद्रोह करीत घडलें. स्वकियांकडेन खर मतभेद करीत घडलें. फुडार काळखी दिसता आसतनाच फुडलें पावल फुडेंच पडत रावलें. मात लेगीत अनमनलेंना. द्विधा मनस्थितिचो केन्नाच आनी इल्लो लेगीत अणभव आयलोना.

भौसाकडल्यान कोंकणी चळवळीक प्रामाणीक विरोध जालो तो व कारणांक लागून. ते वेळचे परिस्थितिचोय संदर्भ ह्या कारणांक लागू पड मराठी देवा-धर्माची भास, म्हणून ती पवित्र भास. त्या मानान कोंकणी अप भास. मराठी प्रगत भास. प्रगत भाशेचो आदार सोडून अप्रगत अशे कोंकण वेंगावपाचो बेभरवंशाचो वेव्हार भौसाक तेन्ना मानवलोना. रेडीमेड अशे मराठ फाट करून कसलोच पत्तो नाशिल्ले कोंकणीक फुडो करपाइत आत्मविस्वास भौसाकडेन नासलो. ह्या भाशीक कारणा वांगडाच आन एका समाजीक कारणाक लागून भौस कोंकणी पासून पयस रावंक सो लागलो. आनी हें कारण आसलें परंपरागत वर्णभेदाचें. जातीभेदाचें.

जातीभेद समाजाच्या सगळ्या मळांचेर, सगळ्या काळांनी कार्यरत उर आमी कोंकणीकडेन वाटचाल केल्ली, त्या वेळारय तो कार्यरत आसा भाशीक प्रस्नाकडेन निगडीत असोय आसलो.

अस्पत, सत्ता आनी शिक्षण ह्या त्रिसुत्राचेर ज्या समाजाचें अधिप चलता त्या समाज घटकाकडसून खंयचेय चळवळिची सुरवात जाता अ संवसारीक इतिहास आसा. ताका तशीं कारणांय आसात. हीं तीन सू अवगत जालो घटक समर्थ जाता. सगळ्या वाटांनी ताच्यांत चळवळ करपा विस्वास निर्माण जाता. चळवळ चलोवपाक जाय ती आनी जाय तशी ता फुरसत मेळटा. सुविधा मेळटा.

हेर भासांसारकीच, कोंकणी भाशीक चळवळ तेदेवेळच्या सम घटकाकडसून सुरू जाली. इतिहासीक कारणांक लागून, ह्या सम समाजघटकाविशीं, संख्येन व्हड आशिल्ल्या हेर समाज घटकांच्या मन एके तरेची चीड आसली. समर्थ-असमर्थांच्या जिवितांतल्या द्वंद्वांतल्या अशी चीड निर्माण जाता. एक संवसारीक प्रतिक्रिया ती. सगलेकडेन, पळोवंक मेळटा. जंय आनी जशी संद मेळटा थंय आनी तशी ती तक वयर काडटा.

कोंकणीची चळवळ जेन्ना ह्या अशा समर्थ घटकाकडसून सुरू जा तेन्ना ती समर्थांची चळवळ म्हणून असमर्थांकडसून तिका विरोध जाव ही चळवळ समर्थांची शक्त जातली आनी असमर्थांचें शोषण करपा समर्थांकडेन आनीक एक सशक्त अशें शस्त्र येतलें हो तांकां भंय आसव गोंयच्या महाराष्ट्रांतल्या विलिनीकरणाक तेंको दिवपाफाटलेंय तांचें

नसशास्त्र आसलें. गोंयच्या समर्थ घटकापरस तांकां महाराष्ट्राचे मराठे गिंचे दिसताले. इतलो तांणी समर्थांचो धसको घेतिल्लो. अर्थात, असमर्थांचो भंय अनाठायीं नासलो. ताका एक लांबशा अणभवाची परंपरा आसली. णून कोंकणीच्या विरोधाखातीर भौसाक कितलो दोश दिवंचो आनी तांणी गिल्ले परिस्थितीक कितलो दिवंचो असो प्रस्न पडटा. अशें जरी आसलें ी तत्कालीन परिस्थितीक शरण वचनासतना भौसान दूरदर्शीपण दाखोवंक य आसलें अशें कोंकणी चळवळिचो इतिहासकार म्हटलेबगर रावचोना.

म्हजें कोंकणीकडेन पावप साक्षात्कारी आसलें अशें जरी म्हटलें, तरी क्षात्काराची अनुभुती आनी प्रक्रिया तशी निखळ उतरांनी सांगप सोंपी जाल न्हय. सादारण १९५५-६०चो काळ तो. गांव बांदोडें. शिकप कवळ्यां सरस्वती हायस्कुलांत. कोंकणी चळवळिचो व्हडलोसो बोध जालोना. म्हळ्यार हायस्कुलाच्या गॅदरींगांत आनी नागेशीं-महालक्ष्मीच्या उत्सवांत वपी कोंकणी कार्यावळिंचें आकर्शण आसलें. अशें आकर्शण, तेन्नाच्या जे बरोबरच्यांकय आसलें. पूण फुडें बांदोडेच्या वाठारांतले हांव आनी शिवदास सोडले जाल्यार भौसांतले आनीक कोण कोंकणीकडेन पावलेनात.

१९६१-६३च्या काळांत, कवळ्यां फुडल्या शिक्षणाची सोय नाशिल्ल्यान, डेंच्या आल्मैद हायस्कुलांत प्रवेश घेवंचो पडलो. हांगा कोंकणी चळवळीच्या ॉर्मल रुपाची वळख जावंक पावली. तेन्ना पिरवळच्या केळेकार कुटुंबांतले रगे आल्मैदांत शिकताले. ते कोंकणीची केस मांडपी, एक धा-बारा पानांची स्तिका भुरग्यांक फुकट वांट्टाले. बरेच जाण ते पुस्तिकेंतलीं उतरां घेवन ळेकार भुरग्यांचीं फकाणांच करताले. म्हज्या हातांत पडिल्ली पुस्तिका वन हांव घरा गेले उपरांत हांवें ती वाचून काडली. आनी म्हाका कोंकणीची 'केस' पटली. कोंकणीची वळख आदींच जाल्ली. कोंकणी चळवळीची जाल्ली ती पयली अधिकृत वळख.

गोंय स्वतंत्र जाले उपरांत कोंकणी तशो मराठीच्यो साहित्यीक कार्यावळी वाडट्या प्रमाणांत जावंक लागल्यो. सरभोंवतणी मराठीचें वातावरण आसतना आनी मराठीची परंपरा आसतना, कोंकणीच्या कार्यावळींक हजेरी लावपाचो आदेश अंतर्मनांतल्यान जावंक लागलो. उपरांतच्या कोंकणी-मराठी वादान कोंकणीचेर जसो जसो अन्याय जावंक लागलो, तशी तशी ह्या अंतर्मनी आदेशाची जाणीव खरपणान जावंक लागली. सुरवेक अर्धजागृत अवस्थेंतली ही जाणवीक उपरांत पूर्ण जागृत अवस्थेंत पावली.

कोंकणी चळवळ दोन समांतर अशा पर्वांनी चल्ली. आंदोलन-पर्व आनी साधना-पर्व. ह्या दोनूय पर्वांचें आपलें अशें योगदान कोंकणी चळवळीक घडलां आसलें तरी आठव्या परिशिश्टामेरन कोंकणी व्हरपाक आंदोलन पर्वाचें योगदान निश्चितच व्हड आसा. म्हज्या वैयक्तीक कारणांक लागून हांव आंदोलन-पर्वाचो सक्रीय वांटेकार जावंक पावलोंना. हांवें साधना-पर्वांत, म्हज्या वांट्याक आयिल्लें काम, म्हजे कुवतीप्रमाण केलां, करीत आसां.

महायज्ञांत ज्यो समिधा पडटात त्यो समिधा पावन जातात. तांचें सार्थक जाता. कोंकणीच्या महायज्ञांत म्हजी एक समिधा पडल्या. ते समिधेचो महायज्ञाक कितें फायदो जालो खबर ना. खबर करून घेवपाची गरजूय दिसना. म्हजी समिधा पावन जावंक कोंकणीचो महायज्ञ कारण जालो, तेबद्दल महायज्ञाचे उपकार. पस्तीस चाळीस वर्सां पयलीं, पंदराएक वर्सांचे पिरायेर, कोंकणीकडेन वळिल्लीं पावलां, योग्य दिकेन आसलीं ही अनुभुती एक विपरीतच आनंद दिवन वता. खरेली जोड ती ही. ✻ ✻ ✻

एका नियाळाचो नियाळ

प्रा. बाळकृष्ण कानोळकार

रुचिची रूच काडप ! म्हाकठीण. आनी ती विस्कटावण सांगप ! कर्मकठीण. तसलोच सो प्रसंग म्हजेर हांगा आयला. दोतोर किरणबाय बुडकुले हांगेलें **साहित्य नियाळ : अंतरंग आनी कायारुपां** हे समिक्षेसंबंदांतलें पुस्तक म्हजे मुखार कांय प्रस्न दवरता. ते सुटावे करपाचो हांव यत्न करतां.


किरणबायचें हें पयलेंच – कोंकणींत उजवाडाक येवपी – पुस्तक. 'पयलो चंवर' हे येवजणेखाला तें कोंकणी अकादेमीच्या पालवान प्रकाशित जालां. तातुंतल्यान पयल्या चंवराची सुलूस जाणकार वाचप्याक मेळटा. साहित्य समिक्षेच्या मळार जे तरणाटे वाट माड्डोवंक आंवडेतात तांकां उर्बा दिवपी असो हो प्रयत्न आसा म्हळ्यार अतिताय जावंची ना. हें पुस्तक वाचतल्याक समिक्षे संबंदांतले मुळावे प्रस्न आनी तिचीं तत्वां हांची वळख जाले बगर रावचिना.

'साहित्य नियाळ' हें पुस्तक सिद्ध करपा फाटलो उद्देश लेखिकेन स्वताक विशद करून सांगला. ती म्हणटा, 'साहित्य-नियाळाच्या विविध पतींवरवीं वाचप्याक आपलेपुरतीं नियाळाचीं रुपां वळखूंक उत्तेजन मेळचें असो हावेस हे माण्णेफाटल्यान आसा. हातासरशीं नियाळाच्यो देखी आसल्यो जाल्यार वाचपी तांकां तत्वीक भासाभाशेंतले वेंचीक मुद्दे लावन त्यो पडताळूंक शकता. ते मुद्दे फावो थंय लागू जाले जाल्यार ताका प्रत्यक्ष नियाळाचें आकलन अदीक बरें जातलें. जर एखाद्रया अभ्यासू वाचप्याक दिल्ल्या पर्तीनी खंयच्याय मुद्द्याक पाळो दिल्लो ना हें जाणवलें जाल्यारूय ताका पतींतलें उणेंपण तर कळटलेंच, खेरीज नियाळाविशींची ताची जाणय अदीक प्रगल्भ जातली. नकळटां वाचपी स्वता मज घेवन प्रत्यक्ष नियाळ करूंक प्रवृत्त जातलो. नियाळापतींतलीं उणीं आनी शक्तिस्थळां वळखतां वळखतां घडये ताका आपणाभितरूच जागो जावपी एक सक्षम नियाळपी सांपडुंयेत. हातूंत निरगूळाचो तर लाव आसाच, कोंकणीच्या भावी सिद्धीच्या भाकिताची प्रगटावणीय आसा.'

बाय किरण बुडकुले हांकां आपल्या ह्या पुस्तकाउदेशीं 'कोंकणीच्या भावी सिद्धीच्या भाकिताची प्रगटावणी' आशिल्ली दिसता. ही बरी गजाल. म्हाकाय हाचेविशीं आस्त आसा. पूण 'कोंकणीच्या भावी सिद्धीचें भाकित' म्हळ्यार कितें तें मात म्हजे सारकें मर्तींत आयलें ना. किरणबायलो हो नियाळ साहित्याच्या मोगान – कोंकणी साहित्याच्या मोगान – घडिल्लो आसा हाचेविशीं दुबावूच ना. पूण नियाळ करतना ताची भास सुटसुटीत आसची, नेमकी, निट्ट आसची हाची जागरुकताय लेखिकेन सतत दवरिल्ली जाल्यार दुदांत साकर घाल्लेभशेन जातलें आसलें, अशें सांगनशें दिसता.

पुस्तकाचे बांदावळी विशीं लेखिकेन आपणेंच आंपलें मत परगटायलां. 'पुस्तकाच्या पयल्या अर्दांत निखटे संकल्पनेचे सिद्धांतीक नदरेन, जमता थंय देखी दिवन, फोडणिशी करचेलो यत्न केला. साहित्य-नियाळ हे साहित्य-प्रक्रियेची प्रकृती, स्वरूप, पद्धत आनी प्रकार हांचेवरवीं वाचप्याक, ते संकल्पनेचें अंतरंग होलमतलें अशी आस्त आसा आनी अशी समजणी ताणें आत्मसात केली जाल्यार ताका आपणाले समजणेच्या नाड्यार आपलेपुरतीं साहित्य-नियाळाचीं कायारुपां थारावंक मेळचीं, अशी माण्णी पुस्तकाच्या दुसऱ्या अर्दांत केल्या.' अशे तरेन पुस्तक दोन अर्दांनी वांटून घालां आनी 'साहित्य नियाळ : अंतरंगांकडल्यान कायारुपांकडेन' ह्या तिसऱ्या प्रकरणावरवीं हीं दोनूय अर्दां सांदून घेतल्यांत अशें जाणवता. तशें पळेल्यार ह्या पुस्तकाचें तिसरें प्रकरण सिनेमांतल्या 'ट्रेलरा'सारकें आसा. प्रत्यक्ष नियाळाच्या पतिंची 'झळक' तातुंतल्यान वाचप्याक पयलींच मेळटा आनी तो सांदूर रावता. (हाचे फाटलो उद्देश कितें आसूं येता काय ?)

ह्या पुस्तकांतलीं प्रकरणां मुळावीं स्वतंत्र बरपां, भाशणां वा लेख आसात.



हे लेख हाचे पयलीं विंगड विंगड नेमाळ्यांनी वा परिसंवाद, चर्चासत्रांत
उजवाडाक आयल्यांत. तांचो झेलो गुंथून, सजोवन तो पुस्तक रुपान क
सांतेरीच्या माथ्यार माळूंक सादर केला. पूण एक गजाल जाणवली ती
जी बरपावळ ह्या झेल्यांत आसपावल्या तिची निवळावणी जाल्याशी वि
म्हाका दिसता, ह्या कामची गरज आशिल्ली. ह्या पुस्तकाचे
उजवाडावणेचो योग आयल्यार म्हजे हे सुचोवणेचो मुजरत विचार ज
अशें हांव समजतां.

कोंकणी भाशेंतल्यान आतांमेरेन साहित्याविशीं, साहित्य समिक्षेवि
बरप जालां तें आंकड्यान चड ना. तशेंच, ह्या बरपाक 'समिक्षे'क
आशिल्ली शिस्तय आसा अशें दिसना. (म्हाका दिसता, होच आरोप
म्हजेर, हो लेख वाचून करतले. करात. ताका तुर्ताक तरी उपाय
जें कितें बरयलां तें बरें आनी बरयल्ल्याविशीं बरयलां तेंवूय बरें,
हो सगळो बऱ्याचोच मामलो आसा. हांव जाणां, कोंकणी सा
साहित्य-क्षेत्रांतले बाळक भाशेक आनी तिच्या साहित्य-बाळकांक तोर
गरजेची आसा. पूण हेंवूय खरें की चड तोखणाय आनी अपुरबाय केल
भुरगीं इबाडटात. हांगा हें सांगपाचें कारण म्हळ्यार, नियाळाच्यो ज्यो
ह्या पुस्तकांत आयल्यात तातुंतल्यान तोखणायेचो हुंवार आयला.
हाका लागून त्या-त्या पुस्तकाचें खरेलें मोल, निखटें मोल हाताक ल
कांय पतिंचे बाबतींत तर असो प्रस्न पडटा, की लेखिकेक कितें
आसा ? देखीक **पश्चिमी महाकाव्याच्या संदर्भांत एव आनी मरी** ह्या ले
अखेर पळोवपा सारको आसा. लेखिका समिक्षकाचे नदरेंतल्यान म्ह
''तें कोंकणींतलें महाकाव्य आसा वा ना हें कोंकणी वाचपी थारा
पूण दीर्घ काव्याकडेन नातें आशिल्लें हें एक म्हान कोंकणी काव्य
इतलें खरें.'' 'एव आनी मरी' ह्या एदुआर्द ब्रून द सौजांच्या ग्रंथाच्या स
एक दीर्घ लेख आनी एक स्पूट लेख अशे दोन लेख बरयले उप
लेखिकेची ही आनाळ्यो-गुनाळ्यो करपी स्थिती जाल्यार वाचप्यांची – तां
असले नियाळ वाचून घडपी नियाळपी वा समिक्षकाची – कसली अवा
जातली हे विशीं कल्पनाच केल्ली बरी अशें म्हणनशें दिसता.

ह्या 'नियाळाच्या नियाळा'ची भास वाचप्याक मात्शी कडक वा जळ
लागतली. लागूं. अंजन जळजळीत लागता पूण तें नदर जाळिना.
करता. इतली गजाल मर्तींत दवरल्यार म्हजे जळजळीत भाशेचेर
जावपाचो प्रस्नच उप्रासचो ना.

ह्या पुस्तकामदें ज्यो साहित्य नियाळाच्यो पती दिल्यात तातुंतल्यान
कादंबरी, व्यक्तिचित्रणां, निवेदनां, विनोदी बरप, लघुनिबंद, विचारीक
ललित निबंद, समिक्षात्मक बरप, अणकारीत बरप, काव्य

गड विंगड साहित्य प्रकार हाताळ्ळ्यात. आडवाद फकत नाटकाचो. खिकेचे नदरेंतल्यान हो म्हत्वाचो साहित्य प्रकार कसो सुटलो हें नकळ. शेंय जावं येता, नाटक हो शुद्ध साहित्यप्रकार न्हय असो कांय जाणकारांचो ो समज – घडये अपसमज – आसा, ताका लागून ताचो नियाळांच्या तिंच्या ह्या पुस्तकांतल्यान नियाळ जालो ना. गद्य आनी पद्य बरप शा दोन विभागांनी ह्यो नियाळाच्यो पती वांटून गेल्यात. तातूंत भितर द्य विभागामदें 'कादंबरी' ह्या साहित्य प्रकाराक खुब्ब वाव दिला. ह्या स्तकांतलो 'दीर्घतम' असो निबंध कादंबरी संदर्भांतच आसा. तोय दोन ाटचिऱ्यांच्या संदर्भांत. पद्य विभागांत हो मान म्हाकाव्याक फावो जाला. हाकाव्याविशिंच्या पयल्या लेखांतल्यान वाचप्याक उदेंत आनी अस्तमतेची भोव बरी भोंवडी घडोवपाचें श्रेय मात लेखिकेक दिवचेंच पडटलें. कोंकणींतल्यान म्हाकाव्य बरोवपाचो हावेस बाळगितल्या तरणाट्या कवींक म्हाकाव्याच्या स्वरुपाविशीं बेस बरी कल्पना हो निबंद दिवंक शकता.

पुस्तकांतलीं पयलीं दोन प्रकरणां साहित्य नियाळाचे तत्त्वीक चर्चेंत घुसपल्लीं आसात. तातुंतल्यान नियाळाची प्रकृती आनी स्वरूप कशें आसचें आनी कशें आसचें न्हय हे विशीं चर्चा केल्या. तातुंतल्यान साहित्य नियाळाच्या गुणां आनी दोशांविशिंच्यो वळेऱ्यो पळोवपाक मेळटात. ह्याच विभागांतल्या दुसऱ्या लेखांतल्यान 'नियाळाच्यो पद्धती आनी प्रकार' हे विशीं सांगलां. साहित्य नियाळाच्या तीन बुनयादी फातरांविशीं – म्हळ्यार साहित्य, साहित्यिक आनी साहित्य विचार – विवेचन केल्लें वाचूंक मेळटा. नियाळाच्या कार्यांत तांचें म्हत्व कितें आनी ते विशिंचीं मतां आनी विचार ह्या प्रकरणांतल्यान वाचूंक मेळटात. ह्याच प्रकरणांत नियाळाच्या ढोबळ पद्धतिविशीं लेखिका म्हणटा, ''साहित्य नियाळाच्यो ज्यो ढोबळ पद्धती सामकारावल्यात (वयले भासाभाशेंतल्यान) तांकां (१) आत्मनिश्ठ / व्यक्तीनिश्ठ आनी विशय / वस्तुनिश्ठ, तशेंच (२) अभिजात आनी स्वच्छंद अशें मुद्द्यानिशीं म्हणूंक जाता.'' लेखिकेचें हें विधान घुंवळावन उडोवपी आसा. पयले पद्धतींत 'आत्मनिश्ठ / व्यक्तीनिश्ठ' आनी दुसरे पद्धतींत 'स्वच्छंद' अशें म्हणप हाचो उलगडो जायना. नियाळाच्या पद्धतिंच्या सांगातान लेखिका नियाळ करप्याच्यो धारणा, तागेल्यो प्रवृत्ती आनी प्रयोजनां हेविशींय चर्चा करता. ही चर्चा करता आसतना ''नियाळपी हो एक व्यक्ती जाल्ल्यान ताचेभितरूय आपछंदीपण, अनुकरणप्रियता, समाजाभिमुखता हांचो अदीक-उणो अंश आसप सभावीक आसा'' अशेंय ती म्हणटा. आतां हांचो मेळ कसो घालप ?

नियाळाचे प्रकार सांगतना मौलिक म्हळ्यार मुळावो आनी दुसरो प्रत्यक्ष म्हळ्यार वेव्हारीक अशे दोन प्रकार सांगल्यात. हे वर्गवारींतलो 'प्रत्यक्ष' हो शब्द अर्थाचे आनी औचित्याचे नदरेंतल्यान समा दिसना. त्या संबंदान अदीक विचार जावंक जाय अशें सांगनशें दिसता. Applied ह्या शब्दावरवीं ह्या प्रकाराक वळखतात. देखून ताचेखातीर 'उपयोजित' असो कोंकणीच्या हेर भयण-भासांमदीं चालंत आशिल्लो शब्द वापरूं येता. नियाळाचे प्रकार सोदून काडपाच्या वावराक मजत करपी अशे तीन निकश हांगा सांगल्यात. ते म्हळ्यार, बुन्यादी घटकांक मेळिल्ली प्रधानता, नियाळप्यान लागू केल्ले संदर्भ आनी साहित्यकृतिचे निर्मणेचें प्रयोजन. ह्या दुसऱ्या प्रकरणाचे अखेरेक तीन आकृतायो दिल्यात. तातुंतल्यान आपणालें विवेचन सूत्रबद्ध (खरें म्हळ्यार यंत्रबद्ध) करपाचो यत्न केला तो तोखेवपासारको आसा. पूण निमाणें म्हळ्यार तिसरे आकृतायेच्या खाला जो मजकूर दिला तो गोंदळांत उडोवपी आसा. कसो तो पळेयात. ''साहित्य नियाळाविशीं कसलेय ठोस आराखडे मनांत बांदूंक पळोवपी वाचप्यांक वयल्या आलेखाच्या चारूय भुजांतल्यान फावो ते तरेन जाणविकाय मेळोवची पडटली. हें कठीण नासलें तरी सोंपेंय न्हय. कारण आकृती समजूंक सुविधा जावची म्हणून दिल्ली आसा. तिचेवरवीं पुरायेन शास्त्रशुद्ध असो आनी संपूर्ण डाटा (मुळावी म्हायती) मेळोवप शक्य ना. कारण साहित्य नियाळ ही संकल्पना जितली अनंग आनी अमूर्त आसा तितलोच आलेखांतलो एकान एक घटकय अमूर्त आसा. नेमकी संख्या वा ठोस मेजमाप हांच्या अभावाक लागून जिज्ञासू वाचप्याक खासा आपणाली कल्पनाशक्त आनी प्रज्ञा हांचो सांगड घालुनूच जायती समजणी मेळोवची पडटली.''

ह्या पुस्तकाच्या भोव बऱ्या आंगा विशीं सांगचें जालें जाल्यार अशें म्हणूं येता की ह्या पुस्तकावरवीं लेखिकेन कोंकणी वाचप्याक आनी कोंकणी शिकप्याक बशिल्ले सुवातेर जायती, तरेकवार माहिती करून दिवपी साहित्यिक भोंवडी घडयल्या. तिचें हें अशे तरेचें काम कोंकणी साहित्य-नियाळाच्या वाठारांत नवेंच म्हणचें पडटलें. तेखातीर किरणबायक परबीं.

पूण ह्या पुस्तकांत आयिल्ल्या सगळ्याच लिखाणाक आमच्यांनी समिक्षात्मक म्हणूंक जावंचें ना हाचीय जाण बाळगुची पडटली. हातुंतलें बरेंचशें बरप हें 'Book Review' ह्या प्रकारांत मोडपी आसा. अशा लिखाणाक समिक्षात्मक म्हणप म्हळ्यार समिक्षाविचाराविशिंचें आपणालें अज्ञान प्रगट करपासारकें थारतलें. ताका आमच्यांनी 'सेमी-समिक्षा' अशें म्हणूं येता. 'सेमी-समिक्षा' म्हणचे परस 'कोसी-समिक्षा' ह्याय Anglo-Indian परिभाशीक शब्दाचो त्याखातीर विचार जावं येता. आतां वाचप्यांक प्रस्न पडूं येता, 'कोसी-समिक्षा' म्हळ्यार कितें ? हाचें उत्तर तुमकां ह्या पुस्तकांमदीं एकठायल्ल्या Book Review सारक्या लेखांच्या वाचनान मेळूं येता, इतलेंच सांगतां.

आतां निमाणेकडेन सांगचें म्हळ्यार, नियाळाचीं तत्त्वां आनी पती हांचो सांगोड घालपाचो प्रयत्न म्हळ्यार हें पुस्तक. लेखिकेन हाका 'द्राविडी प्राणायाम' अशें आपणेंच म्हळां. पूण असो द्राविडी प्राणायाम करपांत तिचोच लाव आसा अशें तिचें म्हणणें. हो लाव म्हळ्यार, ''ते ते साहित्य-कृतिचो नियाळ करतना जीं मार्गदर्शक तत्त्वां वा जे निकश त्या त्या वेळार नियाळाच्या त्या त्या पतींक लायिल्ले तांचो आज पुनर्नियाळ करून त्या नियाळाचें येस-अपेस कितलें हें तटस्थपणान आपशींच समजूंक बरें जातलें.'' पूण सांगचें म्हळ्यार, असो 'पुनर्नियाळ' करून ताचीं findings कितें हेविशीं लेखिकेन 'आळी मिळी गूप चिळी' केल्या अशें दिसता.

हें पुस्तक म्हळ्यार, खऱ्यांनी पळोवपाक गेल्यार, 'आधीं कळस मग पाया' हे स्वरुपाची निर्मणी जाल्ल्या कारणान ताचेर 'रेखणेचो निमणो हात' भोंवडावप भोव गरजेचें आशिल्लें. पूण ताचो उणाव जाणवता.

समिक्षा ग्रंथाक फावो नाशिल्ली अशी भास साबार प्रमाणांत वापरल्या. ती टाळूं येता आशिल्ली. देखीक, ''कोंकणी साहित्याच्या सर्जनान रसरसपी वालीक हालीं चिकित्सक बरपाचेंय फळ धरलां. हाचोच परिपाक म्हळ्यार सर्जनशीळ बरप्याच्या खांदाक खांद लावन आज साहित्य नियाळ ही संकल्पना कोंकणी साहित्य संवसारांत मोट्या दिमाखान वावुरता. पुडव्याची देग वा कापडाचो कांठ जाल्लेवरी हें जोड-उतर साहित्याचो शेव (पदर) धरून रावलां.''

आजवेर कोंकणी भाशेंतल्यान साहित्य नियाळाच्या नांवान जें जल्मलां तें 'मखलाशी' आसा अशेंच म्हाका दिसता. एके परीन तें वेवसायीकच आसा. ताचें वेटोळें कोंकणी साहित्याक खुब्ब पयलींसावन अंदूक लागलां. तातुंतल्यान ताची सुटका जावचेली आसत जाल्यार आमकां साहित्य नियाळ हे प्रक्रियेक 'पुनश्च हरी ओम्' म्हणून पर्थून एकदां जाणीवपूर्वक जाणते सकस मनभुयेंत रुजवण घालचें पडटलें.

ह्या पुस्तकाचें स्वरूप चक्रव्यूहा भशेन जालां. भितर वतलो भितर वता. पूण भायर आयिल्लो दिसना. जो कोण येत तो भाग्यवान. ''नीज सर्जनशीळ बरोवप्याक नियाळप्याकडल्यान ना अवाजवी तोखणायेची अपेक्षा आसता, ना अवास्तव टिकेची भिरांत. ताका अपेक्षीत आसता एक नितळ नदर

आनी निवळ अभिप्राय.'' लेखिकेवरी हांवूय ह्याच मत्ताचो आशिल्ल्यान हो नियाळ थोडोभोव निर्भीड आनी बेमुर्वत जावं येता.

वतां वतां निमाणें एक नमळायेचें मागणें. कोंकणींतल्या भावी नियाळप्यांनी ह्या पुस्तकाचें चुकनासतना वाचन करचें. ताचेवरवीं ह्या पुस्तकांत आयिल्ल्या कायांरुपांतल्यान 'साहित्य नियाळ' हे संकल्पनेचें अंतरंग होलमतलें अशी आस्त लेखिकेवरी हांवूय बाळगितां.

म्हगेल्या ह्या नियाळामदें जे कांय दोश आसतीत ते म्हजे आनी एखाद्रो गूण होलमलो तर तो ह्या पुस्तकाच्या जाणीवपूर्वक वाचनाक लागून अशें समजुचें. हें पुस्तक आमकां सगळ्या कोंकणी सांतेरीच्या लेकरांक नितळ आनी निवळ नदर दिवं अशें गाराणें घालीनशें दिसता. म्हज्या ह्या नियाळाक न्हय, निदान ह्या गाराण्याक तरी नवे फागूर फुटचे अशें मागतां.

साहित्य नियाळ: अंतरंग आनी कायारुपां
डॉ. किरण बुडकुले
ॐ श्री दत्त पद्मजा प्रकाशन, १९९८
पानां: १५६
मोल: ७५/- रुपया

उजवाडावप्यांक / बरोवप्यांक उलो

'जागां'तल्या 'साहित्य-नियाळां'त तुमगेल्या पुस्तकांचो आसपाव जावचो अशें दिसता जाल्यार आमकां पुस्तकाची एक प्रत 'साहित्य-नियाळा खातीर' अशें बरोवन धाडून दिवची. पुस्तक पाविल्ल्याची पोंच तुमकां 'जागां'तल्यान रोखडीच मेळटली. आमचे कडेन आयिल्ल्या पुस्तकां भितरल्या वेंचीक पुस्तकांचे नियाळूच ह्या सदरांत उजवाडा येतले. तुमी धाडटात तें पुस्तक हालींच उजवाडा आयिल्लें (दोन वर्सां भितरलें) आसचें हाची जतनाय घेवची.

— वावुरपी संपादपी

जाग

वर्स २४ : ऑगस्ट १९९७ — जुलै १९९८

□ वैचारीक / ललीत निबंद

नदर संपादप्याची

आगस्ट पन्नासावो पंदरा ऑगस्ट; फादर (एच्. ओ. मास्कारेन्यश).

सप्टेंबर काळो पयसो भायर कसो काडचो; ना जाल्यार आमकां नक्सलवादी जावचें पडटलें; चा.फ्रा.; गांधींचो प्रभाव.

नोव्हेंबर कोंकणी 'शिक्षण'; तांकां परते आपोवया; अवगुणांची उवेखणी नाका; ऊधो, कर्मन की गति न्यारी.

डिसेंबर कोंकणी कोणें केली ?; पत्रकाराचें मिशन; सायनच्यान बांदऱ्यामेरेन – टॅक्सींत

जानेवारी खंयचो बावटो देंवयलो आमी ?; देश जिवो उरला तो हांकां लागून; फॉरेन गार्बेजूय ?; तरांतरांचें बंदेपण; रे गाफिल गफलत मत कर.

फेब्रुवारी गरिबाय – ती वेगळी, ही वेगळी; नदरूच बदलूंक जाय; बिसेनजी.

मार्च कोण उरपाचे नात; कोंकणी बरपावळींत भर; वेव्हारवादी राजकर्ण; बेश्टी फाट थापटून घेवंया नाका.

एप्रिल दोन नदरो; आमचे संस्कृतायेचें मूळ तत्त्व – समन्वय; 'निर्लज्ज, निर्बुद्द... वाटमारे'.

मे भुरग्यांचें भुरगेपण चिड्डूं माड्डूं नाकात; बरे लोक वेंचून हाडपा खातीर; विरोधकांच्या हका खातीर; तांतयांय सोडचीं पडलीं आतां; भाऊ.

जून अप्रमाद; केषां अमोघ वचनम्; ही संस्कृताय तिगून उरपाची ना; स्वातंत्र्य संग्राम वजा गांधी = शून्य; लोकशायेच्यो शिमो; भुरग्यांक सगळें समजता आं...

जुलै 'ह्या घरांत हांव रावतालों एका काळार'; श्रम – एक साधन समाज बदलपाचें; उपनिषदांतलो एक कॉन्वोकेशन एड्रॅस; 'सारे जहाँ से अच्छा'.

साहित्य नियाळ / समिक्षा

आगस्ट कांदळां – देविदास कदम
नियाळ: रवीन्द्र म्हाड्डोळकार

सप्टेंबर कोंकणी सरस्पतिची प्रासादीक पंचखादय
(१९९७त कोंकणी भाशा मंडळाचे पुरस्कार जोडिल्ल्या पुस्तकांचो नियाळ)
– डॉ. किरण बुडकुले

ऑक्टोबर आदि पर्व: केरळांतली कोंकणी साहित्यीक चळवळ मार्गदर्शन करून गेलेली अग्रगामी पिळगी
– शरतचंद्र शेणै ✓

नोव्हेंबर कर्तुत्वी कन्या – ज्योती कुंकळकार
नियाळ: रवीन्द्र केळेकार

डिसेंबर साहित्य स्वाध्याय – चंद्रकांत केणी
नियाळ: प्रियदर्शिनी तडकोडकार

जानेवारी काशिक म्हणचेंच पडटा – काशिनाथ शांबा लोलयेंकार
नियाळ: अना म्हांबरो

फेब्रुवारी खांवटें – मधुसूदन जोशी
नियाळ: प्रियदर्शिनी तडकोडकार

मार्च आत्मवंचना – पुंडलीक नारायण नायक
नियाळ: सुमंत केळेकार
व्यक्तिचित्रण: कोंकणी साहित्याच्या संदर्भात
– प्रियदर्शिनी तडकोडकार

एप्रिल भोगदंड – हेमा नायक
नियाळ: तानाजी हळर्णकार

मे भितरलें तुफान – जे. बी. मोरायस
नियाळ: मनोज कामत

जून अक्षतां – आर्. एस्. भास्कर; अंतरनाद – शरतचंद्र शेणै
नियाळ: नागेश करमली ✓

शणै गोंयबाबांली कोंकणी अस्मिताय जागोवपी बरपावळ
– माधवी सरदेसाय

जुलै अद्रुश्ट; अरण्यकांड – महाबळेश्वर सैल
नियाळ: डॉ. किरण बुडकुले

बाकीबाबांली कविता
– माधव बोरकार

भासविज्ञान: म्हजो वावर, म्हजीं उतरां
(वेवसायीक उतरावळिंचेर वावर)

आगस्ट कुंभार: एक कुशळ वेवसायीक – एरीक फर्नांदीश
सप्टेंबर रेंदेरमाम आनी ताचो धंदो – जुजे साल्वादोर फेर्नांदीश
नोव्हेंबर सर्द फसलेचें शेतकाम – सुमन गांवकार
डिसेंबर गोंयची नुस्तेमारी – जितेन्द्र नायक
जानेवारी हांव मेस्त उलयतां – जितेन्द्र च्यारी
फेब्रुवारी उतरां म्हजीं भांगराचीं – अभिजित पेडणेकार
मार्च गोंयचो पदेर – रोझी पैरैर
एप्रिल कुळागर – ज्योती नायक
मे म्हारवता विशीं – रेशा नायक
जून शेतांगण (गोंयांतल्या शेतकामाच्यो तरा) – प्रकाश पर्येकार
जुलै आवतां घिणें लाकूड मोनें (मेस्तकामा विशीं) – उल्हास नायक

इतिहासाचीं पानां

आगस्ट डॉ. सुमित्र मंगेश कत्रे हांची एक चीट.

सप्टेंबर पुंडलीकजी कातगडे हांची एक चीट.

नोव्हेंबर १९६३तल्यो बयाभावाल्यो दोन कविता आनी तांकां कवितेच्या रुपान रवीन्द्रबाबान धाडिल्ली जाप.

डिसेंबर 'हा मराठी-कोंकणी वाद आतां थांबवा' ('गोमंतक' दिसाळ्याच्या ९ जून १९६२च्या आंकांत उजवाडा आयिल्लो वामनबाब कुंडयकार हांगेलो लेख).

जानेवारी 'मराठीन भूतकाळ सांबाळ्ळो, कोंकणी भविश्यकाळ सांबाळटली' (२५-५-६८च्या 'कोंकणी' पत्राचेर आयिल्लें लक्ष्मणराव सरदेसायालें मत्त.)

फेब्रुवारी 'डॉ. कत्रे काकांच्या कार्त्रींत' (२४ जून १९६८च्या 'केसरी'च्या आंकांत आयिल्लो प्रा. अ. का. प्रियोळकार हांगेलो लेख.)

मार्च 'पुरे झाला हा आशीर्वाद' (१ जुलै १९६८च्या 'केसरी'च्या आंकांत उजवाडा आयिल्लो प्रा. अ. का. प्रियोळकार हांगेलो लेख.)

एप्रिल 'प्रियोळकरप्रणीत कोंकणी 'वादा'ची उपपत्ति' (२५ मे १९६८च्या 'कोंकणी'च्या आंकांत छापून आयिल्लो रा. ना. नायक हांगेलो लेख.)

मे १९८३त 'नवप्रभा' दिसाळ्यांत उजवाडा आयिल्ल्यो दोन चिटी: 'लोकांमध्ये सुसंवाद निर्माण करण्यासाठी रवीन्द्र केळेकरांचे 'स्वगत'

आवश्यक – द्वा. भ. कर्णिक.
'रवीन्द्रबाब केळेकरांनी नवप्रभात स्वगत सदर पुन्हा सुरू करावे' – वामन कुंडयकार.

जून काका कालेलकरांल्यो दोन चिटी.
जुलै रा. ना. नायक हांची एक चीट.

हेर

सप्टेंबर अर्दी-मर्दी – दामोदर घाणेकार
ऑक्टोबर महात्मा गांधी आनी भारतीय शिक्षण – सुमन्त केळेकार
फुलवुड्यां पंचम – शंकर रामाणी
चार दसकांची साहित्ययात्रा – रवीन्द्र केळेकार
हुस्को – महादेव नाडकर्णी
नोव्हेंबर साहित्यीक नदरेचो उजवाडावपी – सुमन्त केळेकार
एप्रिल बरी वागणूक हेंच मनीसपण – – भोलानाथ अडवलपालकार
मे भारत-थायलँडाक जोडपी सेतू: बौद्ध धर्म – – चंद्रकांत केणी
राग एक चिंतन – लक्ष्मीबाय सरदेसाय
जुलै झाडां आमची गिरेस्तकाय – – डॉ. जयवंतराव सरदेसाय
जुलै, आगस्ट, सप्टेंबर, नोव्हेंबर ते फेब्रुवारी — तथागत (निमण्यो स खिस्ती) – रवीन्द्र केळेकार.

□ कथा/दीर्घकथा

आगस्ट तिसाल – जयमाला दणायत
सप्टेंबर डंपींग स्टेशन – मधुसूदन जोशी
ऑक्टोबर कुंकुमार्चन – मीना काकोडकार
मिंगेलीर्ली घरर्ची – दामोदर मावजो
खरोंच हांव चुकिल्लों? – महाबळेश्वर सैल
अबुद्द बाळक – देविदास कदम
विस्वासाची कोमरी – रुपाली किर्तनी
सांकळ – ॲन्सि पालड्का
जीवघात – सोनिया चार्ल्स डि'कॉस्ता
पात्तुमायली बोकडी – वायकम मुहम्मद बशीर. अणकार: आर. के. राव.
नोव्हेंबर ख्यास्त – मेहरनिन्सा परवेज. अणकार: उदय देशप्रभू.
डिसेंबर भुरग्यांलो खेळ – शीला कोळंबकार
जानेवारी ऋतु संक्रमण – गोकुळदास प्रभु
फेब्रुवारी बॅत्लॅहॅम – एडवीन जे. एफ्. डिसोजा
मार्च पसंती – सुधा खरंगटे
एप्रिल नर्तकी – चंद्रकांत केणी
मे मॅरी क्रिसमस डॅडी – एडवीन जे. एफ्. डिसोजा
जून लुंगी – सोनिया दे कोस्ता
जुलै भाऊ, शंकू आनी बुरांटो – अना म्हांबरो

□ नाटकुलीं

ऑक्टोबर एक इतिहासीक कोलाज – एस्. डी. तेंडुलकार
एप्रिल, मे एक खेळ काळखाचो – अभयकुमार

□ कविता

आगस्ट हाय रे देशा – पूर्णानंद च्यारी
एक कविता – रमेश वेळुस्कार; चेहरो – परेश नरेंद्र कामत
सप्टेंबर चांफेल्ली दनपार – शंकर रामाणी
सीतेची व्यथा – विजयाबाय सरमळकार
सैम पिश्या मना – प्रकाश पर्येकार
कविता सोदता राबितो – शरतचंद्र शेणै
पावस / पाणी – माधव बोरकार
ऑक्टोबर तीन कविता आनी एक चार – रमेश वेळुस्कार
तमसो मां... – शंकर रामाणी
आवयले निशेप – आनंद वर्टी
नांव / पेले गाळींत – माधव बोरकार
सकाळ, तूं आनी हांव – परेश नरेन्द्र कामत
जियेवप कठीण जायत चल्लां – रवीन्द्र म्हाड्डोळकार
मटण शॉप – राजय पवार
प्रवाहाच्या एका मोडणार – भालचंद्र गांवकार
नोव्हेंबर अर्थाक हांव / संदर्भ – माधव बोरकार
म्हजो गांव – भालचंद्र गांवकार
डिसेंबर ती गेली ना – शरतचंद्र शेणै
व्हडें – शंकर रामाणी
सपन – सुनिता सुभाष शाह
जानेवारी गर्भभोंवरी – राजश्री महाबळेश्वर सैल
रंगपंचम – शंकर रामाणी
पोटलावन घे – परेश नरेन्द्र कामत
सो कॉल्ड सुटकेझुजाऱ्याक – राजय रमेश पवार
फेब्रुवारी दिवो – सखाराम बोरकार
गर्भ – परेश नरेन्द्र कामत
घुस्मटमार – आनंद वर्टी
उतरां (चार कविता) – माधव बोरकार
मार्च तरसाद – फेर्नान्दु पेस्सोअ. अणकार: भोलानाथ अडवलपा
मातयेच्या देहाक – प्रकाश पाडगांवकार
किण्ण – परेश नरेन्द्र कामत
एक घर कोसळूंक पावलां – राजय रमेश पवार
सुर्यास्त – सुनील पालकार
चैत्र येता – भालचंद्र गांवकार
कविता / नवस / कोर – माधव बोरकार
काळाशीं इश्टागत – सुरेश आमोणकार
एप्रिल चारोळ्यो – राजय रमेश पवार
गांठ – परेश नरेन्द्र कामत
दिकाहीन पांयवाटेन... – सु. म. तडकोड
एक झाड जुनें (गजल) – प्रभाकर नाडकर्णी
एकवट – आनंद वर्टी
दुर्बीण – प्रकाश पाडगांवकार
मे हांव – शंकर रामाणी
प्रज्ञेवंत मन – प्रकाश पाडगांवकार
सवण्यांच्या कुळारा – परेश नरन्द्र कामत
शेणिल्लो गांव – नूतन साखरदांडे
वर्तमान – प्रभाकर नाडकर्णी
जून दुवादस दुवे – रमेश भगवंत वेळुस्कार
सपन – मंगला शिवदास
कविता – माधव बोरकार
फास्क्यो – राजश्री महाबळेश्वर सैल
जुलै फिक्शन – पूर्णानंद च्यारी
सांग गो म्हाका माळुणा – राजय रमेश पवार
येतना वेतना – शिवाजी कुडचडकार
पारजतां – नयना नाडकर्णी
मनीस – सखाराम बोरकार

□


आगस्ट जाग वर्स २२ साहित्य वळेरी
सप्टेंबर जाग वर्स २३ साहित्य वळेरी

महाराष्ट्र अमुचा
आधार भारताचा

जनतेच्या कल्याणाच्या नवनवीन योजना युती शासनाने जाहीर केल्या आणि त्यांची प्रभावी अंमलबजावणी करून महाराष्ट्राला देशात आघाडीचे स्थान मिळवून दिले. त्यामुळेच राष्ट्रीय पातळीवर महाराष्ट्राकडे विकासाचा अग्रदूत म्हणून पाहिले जाते. युती शासनाने अनेक महत्वपूर्ण आणि धाडसी उपक्रम राबवून देशासमोर एक आदर्शही निर्माण केला.

शेतीपासून उद्योगापर्यंत, शिक्षणापासून संस्कृतीपर्यंत, विज्ञानापासून तंत्रज्ञानापर्यंत जीवनाची सर्वच क्षेत्रे शिवशाहीच्या उपक्रमांनी घुसळून काढली आणि त्या मंथनातून सर्वसामान्य माणसाला मिळाली नवी संजीवनी!

• गारपीटग्रस्त शेतकऱ्यांनी वेळीच दिलेली भरघोस आर्थिक मदत • महिलांना सन्मानित करणारे, स्वावलंबी बनविणारे महिला धोरण • आधुनिक वेबसाईटवर महाराष्ट्र • शासकीय कार्यालयांचे संगणकीकरण • कापूस उत्पादकांसाठी एकाधिकार योजना व इस्त्रायली तंत्रज्ञान • कृषी खात्याची पुनर्रचना व एक खिडकी योजना • जागतिक पातळवरील गुंतवणूकदारांसाठी ॲग्रो ॲडव्हाण्टेज महाराष्ट्र • कृष्णा खोरे विकासासाठी गतिमान व प्रभावी उपाययोजना • मुंबई-पुणे द्रुतगती महामार्गाच्या कार्याला गती • प्रत्येक जिल्ह्यात सैनिकी शाळा व वृद्धाश्रम • ग्रामीण भागातील महिलांसाठी स्वच्छतागृहे • टँकरमुक्तीकडे वाटचाल • क्रीडा धोरण व क्रीडा प्रबोधिनी • मुंबईतील पोलिसांना लष्करी पद्धतीची अत्याधुनिक दळणवळण यंत्रणा • राज्यातील पोलिसांसाठी उपग्रहामार्फत दळणवळण. अशा अनेक मानदंडांच्या सहाय्याने विकासाचा झंझावात निर्माण करीत आहे अमुचा अग्रेसर महाराष्ट्र!





॥ भारतीय स्वातंत्र्याला त्रिवार प्रणाम ॥

माहिती व जनसंपर्क महासंचालनालय, महाराष्ट्र शासन